अखिल भारतीय कोंकणी परिशद

अस्मिताय

28 वें अधिवेशन

ता. 17, 18 आनी 19 फेब्रुवारी 2012

शर्णै गोंयबाब नगर (स्वातंत्र्यवीर सावरकर सभागृह, शिवाजी पार्क, मुंबय)

एक भास, एक लिपी, एक साहित्य

अखिल भारतीय कोंकणी परिशद

28 वें अधिवेशन

ता. 17, 18 आनी 19 फेब्रुवारी 2012

शणै गोंयबाब नगर (स्वातंत्र्यवीर सावरकर सभागृह, शिवाजी पार्क, मुंबय)

अस्मिताय

स्मरणिका

- संपादन -

सौ. सुनिता गुरुदास काणेकार

-प्रकाशक-

श्री. आर. एस. भास्कर

सरकार्यदर्शी, अखिल भारतीय कोंकणी परिशद

-अक्षर जुळवणी / छापणावळ-

प्रभू इमेज, फोंडा-गोवा.

टीप - हे स्मरणिकेंत उक्तायिल्या मतांकडेन संपादक आनी अखिल भारतीय कोंकणी परिशद सहमत आसतलीच अशें नां.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशद
28 वें अधिवेशन
17 ते 19 फेब्रुवारी, 2012

शणै गोंयबाब नगर
(स्वातंत्र्यवीर सावरकर सभागृह)
शिवाजी पार्क, मुंबय

- आयोजक -

आमी गोंयकार, मुंबय

- मुखेल सोयरे -

श्री रामदास भटकळ, प्रकाशक आनी अध्यक्ष, आंतर भारती अनुवाद सुविधा केंद्र, मुंबय

- मानाचे सोयरे -

श्री रघुनंदन कामत, उद्देजक

- अध्यक्ष -

श्री अरविंद भाटीकार, IAS (निवृत्त)

डॉ. एच. शांताराम, अध्यक्ष
श्री. गोकुळदास प्रभु, कार्याध्यक्ष
श्री. आर.एस. भास्कर, सरकार्यदर्शी
(अखिल भारतीय कोंकणी परिशद)

डॉ. प्रेमानंद रामाणी, अध्यक्ष
श्रीमती निरूपा केणी, सरकार्यदर्शी
(येवकार समिती)
28 वें अधिवेशन
अखिल भारतीय कोंकणी परिशद

कार्यक्रम

शुक्रार, 17 फेब्रुवारी, 2012

दनपरां 2.00 - प्रतिनिधी नोंदणी
सांजे 5.00 - च्या
5.30 - **उद्घाटन**
येवकार गीत
येवकार अध्यक्षालें उलोवप : डॉ. प्रेमानंद रामाणी
कार्याध्यक्षालें उलोवप : श्री. गोकुळदास प्रभू
उत्कावण / उद्घाटकाचें उलोवप : श्री. रामदास भटकळ
मानाच्या सोयऱ्याचें उलोवप : श्री. रघुनंदन कामत
सन्मान
स्मरणिका, नवीं पुस्तकां, आदींचें प्रकाशन
आदल्या अध्यक्षालें उलोवप : डॉ. एच. शांताराम
अध्यक्षालें भाशण : श्री. अरविंद भाटीकार
उपकार : श्री. आर. एस. भास्कर
रातीं 7.30 - सांस्कृतीक कार्यावळ
9.00 - जेवण

शेनवार, 18 फेब्रुवारी, 2012

सकाळीं 8.00 - सकाळची च्या
9.30 - **परिसंवाद 1 : कोंकणी शिक्षण - समस्या आनी आव्हानां**
अध्यक्ष - डॉ. मोहन पै
प्रबंध - डॉ. देवदास पै, डॉ. प्रकाश वजरीकर, श्री. पय्यनूर रमेश पै
चर्चा - सौ. सुनिता काणेकार, श्री. अरुण उभयकार

11.30	–	**परिसंवाद 2 : कोंकणी मनशांच्या सोदांत – संघटन आनी प्रसार**
		अध्यक्ष – डॉ. तानाजी हळर्णकार
		प्रबंध – डॉ. उषा हेरंजल, श्रीमती सुमन कुराडे, श्री. लूई रोड्रिगस
		चर्चा – श्री. आल्फी मोंतेरो, श्री. रोझारियो पिंटो
दनपरां 12.30	–	**कवी संमेलन 1.**
		अध्यक्ष – श्रीमती अरुणा राव
		सहभागी – श्री. झिलू गांवकार, श्रीमती इन्दु गेरसप्पे, श्री. ज्ञानेश्वर तारी, श्रीमती उषा कामत, श्रीमती शोभा फुलकार
		श्री. कर्ण खांडेपारकार, श्री. सुधीर कोडकर्णी, श्रीमती दीपा खोलकार, पी.टी. नायक, श्रीमती साधना कामत,
		श्रीमती रेखा नायक, श्री. नागेश अणवेकार, श्रीमती सरस्वती नायक, श्री. चित्तरंजन नायक, श्रीमती रूपा कोसबें,
1.30	–	जेवण
2.30	–	परिसंवाद 3 : नवें युग आनी आधुनीक वेवसाय – कोंकणी युवक फाटीं आसा व्हय ?
		अध्यक्ष – श्री. मोहन संझगिरी, CA
		सहभागी – श्रीमती आदिती कारे पाणंदिकार, डॉ. झाहिर काझी,
		श्री. रमेश प्रभु CA, श्री. केशव नायक, श्री. यशवंत कापडी
सांजे 4.00	–	च्या
4.30	–	**परिसंवाद 4 : कोंकणी अस्मितायेचे राखणे खातीर कोंकणी रंगभुमीचें योगदान**
		अध्यक्ष – श्री. पुंडलीक नायक
		प्रबंध – श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार, श्री. गुरु बांटवाळकार, डॉ. सी.एन. शेणै, श्री. जी.के. राव
		चर्चा – श्री. आनंदराय किणी, श्री. सन्देश बांदेकार
6.00	–	**भुरग्यांची कार्यावळ**
रातीं 7.00	–	**सांस्कृतीक कार्यावळ**
9.00	–	**जेवण**

आयतार, 19 फेब्रुवारी 2012

सकाळी 8.00	–	**च्या**
9.30	–	**परिसंवाद 5 : गोंय आनी लागींचो प्रदेश – लागणूक आनी एकचार**
		अध्यक्ष – ॲड. उदय भेंब्रे
		प्रबंध – श्री. नागेश करमली, श्रीमती आशा पालणकर
11.00		चर्चा – श्री. महाबळेश्वर सैल, श्री. उल्हास देसाय
	–	**कवी संमेलन 2**
		अध्यक्ष : श्री. मेल्विन रोड्रिग्स
		सहभागी : श्री. रमेश वेळुस्कार, श्री. जे.बी. मोरायस, श्री. प्रकाश पाडगांवकर, श्री. माधव बोरकार,
दनपरां 12.30		श्रीमती नूतन साखरदांडे, श्रीमती माया खरंगटे, श्रीमती नयना आडारकर, श्री. जे.बी. सिक्वैरा, श्रीमती ग्वादालूप डायस,
		श्री. आर.एस. भास्कर, श्री. पी.एन. शिवानंद शेणै, श्री. संजीव वेरेंकार, श्री. निलबा खांडेकार, श्री. सुनिल पालकार,
		श्री. जेस फेर्नांडीस, श्री. परेश कामत, श्री. प्रकाश नायक,श्री. राजय पवार, श्रीमती फिलोमिना सांफ्रासिस्को
	–	**समारोपाचो समारंभ**
		येवकार – डॉ. प्रेमानंद रामाणी
1.30		मुखेल सोयऱ्यांचे उलोवप – श्री. सुरेश प्रभु (आदले केन्द्र मंत्री)
		सन्मान
		अध्यक्षीय भाशण – श्री. अरविंद भाटीकर
		उपकार
	–	**जेवण**

अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, पणजी-गोंय

कार्यकारी मंडळ : 2010-2012

▪ अध्यक्ष्य	:	डॉ. एच. शांताराम
▪ उपाध्यक्ष्य	:	श्री. रमेश वेळुस्कार
▪ कार्याध्यक्ष्य	:	श्री. गोकुळदास प्रभू
▪ उपकार्याध्यक्ष्य	:	श्री. के. के. सुब्रमण्यम श्री. यु. एस. शणै श्री. पी. एन. शानभाग
▪ सरकार्यदर्शी	:	श्री. आर. एस. भास्कर
▪ पालवी कार्यदर्शी	:	श्री. ज्ञानेश्वर क. तारी
▪ भांडारी	:	श्रीमती सुनिता काणेकार
▪ वांगडी	:	श्री. व्ही. व्ही. शणै श्रीमती ग्वादालूप डायस श्री. हनुमंत चोपडेकार
▪ खाशेले आमंत्रीत	:	श्री. उदय भेंब्रे डॉ. तानाजी हळर्णकार श्री. सदानंद काणेकार श्री. माणिकराव गावणेकार श्री. बस्ती वामन शणै श्री. पावल मोरस

अधिवेशनाचे येवकारध्यक्ष
डॉ. प्रेमानंद एस. रामाणी हांची वळख

संवसारीक मळार नामना जोडिल्ले डॉ. प्रेमानंद शांताराम रामाणी एक कुशल न्युरोस्पायनल सर्जन, प्रोफेसर आनी लेखक जावन आसात. तांचो जल्म गोंयात, फोंडे म्हालांत जालो. फोंडेच्या आल्मैदा इश्कोलांत शिक्षण घेतले उपरांत उंचलें शिकप ताणी मुंबयच्या सिद्धार्थ महाविद्यालयांत केलें. फुडें मुंबय विद्यापीठाची एम.बी.बी.एस. आनी एम.एस. पदवी प्राप्त केली. न्युरोसर्जन जांवचे पासत ताणी इग्लंड, अमेरिका, जपान, जर्मनी सारक्या देसांनी शिक्षण आनी प्रशिक्षण घेतलें. सद्याक लिलावती आनी सुश्रुषा हॉस्पिटलांत सिनियर सर्जन म्हुण ते कार्यरत आसात.

मुंबयच्या लोकमान्य टिळक स्मारक वैजकी महाविद्यालयाच्या न्युरो आनी स्पायनल सर्जरी विभागाचे मुखेली आनी बरींच वर्सां प्राध्यापक म्हुण वावर करुन उपरांत ते निवृत्त जाले. टाटा मेमोरियल हॉस्पिटल, मध्य रेल्वे रुग्णालय, एअर इंडिया रुग्णालय आदी संस्थांनी ताणी कार्य केलां. हेर प्रतिष्ठीत संस्थांनीय न्युरोस्पायनल सर्जरी विभाग चलोवपांत तांचो म्हत्वाचो वांटो आसा.

ताणी न्युरो आनी स्पायनल सर्जरीचेर धा पुस्तकां बरयल्यांत तशेंच सोळा विडियो कॅसेटी, आनी साद्या सोप्या भाशेंत संदेश दिवपी, जागृताय करपी आनी उपचार सांगपी सुमार पंदरा पुस्तकां बरयल्यांत. राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय मानादीक संस्थाचे ते वांगडी जावन आसात तशेंच राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय संस्थांकडल्यान तांचो भोवमान जाला.



अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे अध्यक्ष श्री. अरविंद भाटीकार हांची वळख

श्री. अरविंद भाटीकार हांचो 08/12/1938 ह्या दिसा मडगांव शारांत जल्म जालो. गोंय पुर्तुगेज शेकातळा आसतना तांचें मुळावें शिकप मराठींतल्यान जालें. मडगांवां भाटीकार कुटुंबान चलयिल्ल्या मॉडेल इंग्लिश हायस्कुलांत एस.एस.सी. मेरेनचें शिकप करून धारवाडाक कर्नाटक कॉलेजांत अर्थशास्त्र आनी फ्रेंच हे विशय घेवन तार्णी बी.ए. ची पदवी घेतली. उपरांत बॉम्बें युनिवर्सिटींत तांचो दुसरो नंबर आयिल्ल्यान, शेतकी अर्थशास्त्र विशयाचेर पी.एच.डी. करपाखातीर तांकां शिश्यवृत्ती मेळ्ळी. त्या उपरांत फुडले जिणेचो मार्ग बदलून, 1965 वर्सा तो आय. ए. एस. परिक्षेक बसलो. 1966 वर्सा ताची भारतीय प्रशासन सेवेंत(आय.ए.एस.) नेमणूक जाली.

कोंकणी भास आनी गोंयकारांची वेगळी अस्मिताय सांबाळपाखातीर गोंय़ांत विलिनीकरणा आड चळवळ जाली. 1961 ते 1964 मेरेन भाटीकारान हे चळवळींत वांटो घेतलो.

भारतीय प्रशासन सेवेंतल्या तीस वर्सांच्या काळांत तमिळनाडू सरकार, भारत सरकार आनी युनायटेड नेशन्सच्या प्रशासनांनी ताणें कारभार हाताळ्ळो. सेवेंत आसतना, सरकारी कामांखातीर 49 फावटीं भायल्या देशांनी आनी दोन फावटीं सबंद जगाची भोवंडी करपाची संद ताका मेळ्ळी.

1996 डिसेंबरांत तो भारतीय प्रशासन सेवेंतल्यान निवृत्त जालो. कांय काळ वेवस्थापन मळाचेर कन्सल्टन्सी करून, आतां वेगवेगळ्या समाजीक चळवळींचो तो एक वांटो जाला. वेगवेगळ्या विशयांचेर बरयिल्ले ताचे 300 वयर लेख हेराल्ड आनी गोमंतक टायम्स दिसाळ्यांनी आनी गोवन ऑब्जर्वर नेमाळ्यांत उजवाडाक आयल्यात.

भ्रश्टाचाराआड झगडपाखातीर ताणें आनी ताच्या इश्टांनी स्थापिल्ल्या 'नितळ जीण ट्रस्ट' ह्या ट्रस्टाचो तो अध्यक्ष आसा. भाटीकार मोडेल इंग्लीश स्कूल चलोवपी मडगांवच्या मॉडेल एज्युकेशन सोसायटीचो, तशेंच कोंकणी भाशेची आनी संस्कृतायेची उदरगत करपाखातीर सुरु केल्ल्या 'अस्मिताय प्रतिष्ठान' ह्या संस्थेचो तो संस्थापक वांगडी आसा. इंग्लीश भाशेंतल्या मुळाव्या शाळांक सरकारी अनुदान दिवपाआड चळवळ सुरु केल्ल्या 'भारतीय भाशा सुरक्षा मंचा' चोय बी तो एक संस्थापक वांगडी आसा.

तो आनी ताची सायकॉलॉजिकल कावन्स्लर बायल स्नेहलता, पणजेच्या करंजाळे वाठारांत रावतात. तांचो कंप्युटर इंजिनियर चलो युगेश, सून वेदा आनी नातरां नीना आनी मीरा हीं अमेरिकेंत आसतात.

प्रशासनांतल्या आनी भौशीक जिणेंतल्या अणभवांचेर आदारुन ताणें बरयिल्ले 'वोंवळां' (यादींचो सर) हें कोंकणी पुस्तक हालींच उजवाडाक आयलां.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या 28 व्या अधिवेशनांतलें अरविंद भाटीकार हांचे अध्यक्षीय भाशण

मायचेर आनी माचे सकयल बशिल्ल्या मानेस्तांक नमस्कार. अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या ह्या 28व्या अधिवेशाचो अध्यक्ष जावपाचो भोवमान तुमी सगल्यांनी म्हाका दिला म्हूण तुमचो हांव उपकारी आसां. 1939त जल्मले हे परिशदेक 72 वर्सा पुराय जालीं आनी ह्या 72 वर्सांत भारतांतल्या कर्नाटक, महाराष्ट्र, केरळ आनी गोंय ह्या चारूय राज्यांनी 27 अधिवेशनां जालीं. स्वागताध्यक्ष, कार्याध्यक्ष आनी अध्यक्ष अश्या साबार पदांचेर कोंकणी समाजांतले व्हड व्हड संशोधक, साहित्यीक, समाजसेवक हीं पदां सोबोवन गेले. 20व्या शेंकड्यांत भारतांतले कोंकणी अस्मितायेक जाग हाडपी आनी आपणाली वज्र लिखणी आनी संशोधनाची तांक हाचे वरवीं कोंकणी ही स्वतंत्र भास म्हूण सिध्द करपी शणै गोंयबाब, तांचें संशोधन आनी तांची बरपां कोंकणी समाजा मुखार दवरपी भोवमानेस्त काशिनाथ नायक, नामनेचे कवी, साहित्यीक, समाज सेवक आनी कोंकणी मळा वयले म्हालगडे माधव मंजुनाथ शणै शानभाग, टी.एम.ए.पै, जे. बी. साल्दाना, प्रो. आरमांद मिनेझिस, फा. एच मास्कारेन्यश, बाकीबाब बोरकार, मारियान साल्दाना, रामचंद्र नायक, डॉ. सुमित्र मंगेश कत्रे, बी. एम. सालेतोरे, रवीन्द्र केळेकार, डॉ. मनोहरराय सरदेसाय, के. के. पै, नागेश सौंदे, डॉ. माडता, डॉ. काशिनाथ महाले, जे. बी. मोरायश, पॉल मोरास ह्या म्हालगड्यांनी आनी हालींच्या काळांत म्हणल्यार 20व्या शेकड्याचे अखेरेक आनी 21व्या शेंकड्याचे सुरवातेक तानाजी हळर्णकार, पुंडलीक नायक, उदय भेंब्रे, बस्ती वामन शणै सारकेल्या कोंकणी मळा वयल्या साहित्यिकांनी, झुजा-यांनी फुडाऱ्यांनी परिशदेची माची सोबयली. व्हड व्हड लोकांची सगळीं नांवां हांवें नमूद करूंक नात, कारण वळेरी खूब लांब जातली. परिशदेच्या अध्यक्षाचें हें व्हड स्थान तुमी म्हजे सारकेल्या एका ल्हान मनशाक दिवन म्हजो व्हड भोवमान केला. कोंकणी अस्मितायेच्या मंदिरात पुजा करपी हजारांनी भक्तां मदलो हांव एक. बाकीबाबांनी सांगून दवरिल्ले प्रमाण कोंकणीच्यो हजारांनी पणट्यो पेटत रावतात तातूंत म्हजी आनी म्हजे बायलेचीय बी. एक पण्टी आसा.

आजय मेरेनच्या 27 अधिवेशनां पैकी 7 अधिवेशनां मुंबय जाल्यांत आनी हें 8 वें. 20व्या शेकड्यांतल्या कोंकणी अस्मितायेचे पुनर्जागृतायेंत चडसो वांटो मुंबयचो. ही मुंबय शणै गोंयबाबांची आनी काशिनाथ नायकांची कर्मभूंय. हे मुंबयत भारतांतले सगळे कडले लोक येवन रावले तशेच कोंकणी लोकांनीय बी हांगा आपलें बस्तान बसयलें. कोंकणी लोकांनी हांगा कोंकणी भाशा मंडळ सुरू केलें. गोंयकार हिंदूंनी गोवा हिंदू असोसिएशन सुरू केलें. मुंबय शिकतल्या गोंयकार भुरग्यांनी गोंय स्वतंत्र जावचे पयलीं हांगा कोंकणी नाटकां सुरू केलीं आनी व्हड दबाज्यान दर वर्सा चलयलीं. त्या नाटकां वरवीं कोंकणी अस्मितायेची आनी एके वेगळे संस्कृतायेची जाणविकाय गोंयकार तरणाट्यांच्या मनांत मूळ घेवन बसली. भायकळा, धोबीतलाव, बांद्रा, गिरगांव ह्या वाठारांनी आशिल्ल्या आमच्या किरिस्तांव भावांचे ''कूड'' म्हणल्यार, कोंकणी भास आनी संस्कृताय बळिश्ट करपाचीं थळां. पोटा फाटल्यान भारतभर आनी भायल्या देशांनी भोंवता आसतना कोंकणी भाशीक लोकांनी आनी गोंयकारांनी उदरगती खातीर एकामेंकांक पालव दिवंक जाय म्हूण उबी केल्ली ही बांदावळ.

1959 ते 1964 मेरेन हांव चर्च गेटाक आशिल्ल्या युनिवर्सिटी हॉस्टेलांत रावन मुंबय युनिवर्सिटीच्या स्कूल ऑफ इकॉनॉमिक्स हातूंत पयलीं एम. ए आनी मागीर शेतकी अर्थशास्त्रांत पी. एचडीचो अभ्यास करतालों. मागीर थंयच्यानच हांवे आय. ए. एस. ची परिक्षा दिवन म्हजी आय. ए. एसात नेमणूक जाली. युनिवर्सिटीत शिकता आसतना कोंकणी नाटकांच्या उत्सवांत वांटो घेवपाची संद म्हाका मेळ्ळी आनी धारवाडा, कर्नाटक कॉलेजींत पेटिल्ली कोंकणीचे पण्टेंतली वात मुंबय येतकच ल्हवू ल्हवू व्हड आनी पर्जळीत जावंक लागली.

गोंय 19 डिसेंबर 1961 त स्वतंत्र जालें. मुंबय कोंकणी भाशा मंडळाचो सेक्रेटरी मुसोलिनी मिनेझीस, ताची बायल आनी कांय विद्यार्थी एकठांय येवन गोंय महाराष्ट्रांत

वचचें न्हय म्हूण हालचाली सुरू केल्यो. 1962 त धोबीतलावच्यान फ्लोरा फावंटन मेरेन सुमार दोन हजार गोंयकारांचो व्हडलो मोर्चा काडून गोंय महाराष्ट्रांत वचूंक जायना, भारताचेंच एक स्वतंत्र राज्य म्हूण उरूंक जाय, अश्यो घोशणा करीत, गोंयकारांक एक वेगळी अस्मिताय आसा हें भारतीय लोकांच्या कानार आमी घालें. मुंबय कोंकणी भाशा मंडळाचें एक मेळूंक जाय म्हूण मागणी केली. मुंबयच्या कोंकणी भाशा मंडळान केल्लो हो मोलादीक वावर अजून मेरेन कोंकणीच्या इतिहासांत व्हड अक्षरांनी बरोवंक ना. काळाजांतली कोंकणी कीट घेवन गोंयांत कोंकणी भाशेचें अखिल गोमंतकीय मराठी साहित्य संमेलनांत गोंयच्या विलिनीकरणाक विरोध केलो आनी गोंयचें महाराष्ट्रांत विलिनीकरण मागपी फुडाऱ्यांचो निशेध केलो. त्या तरणाट्यां मंदी उदय भेंब्रे, हांव, अ. ना. म्हांबरो आनी जांची नांवा म्हाका याद जायनात अशे कितलेशेच तरणाटे आशिल्ले.

मुंबयन गोंयकार आनी हेर कोंकणी लोकांक आपले भुंयेचेर संसार थाटून उदरगत करपाची संद दिली. महाराष्ट्राच्या ह्या राजपटणान भारतांतल्या कोंकणी राज्याची बुन्याद मारप्यांक पालव दिलो. हे बुन्यादीचेर कोंकणीचें मंदीर उबे जावचें न्हय म्हूण जायत्या मराठी साहित्यिकांनी आनी फुडाऱ्यांनी मागीर यत्न केले, पूण तांका येस आयलें ना. आजय कोंकणी परिशद सगल्या राज्यांनी भौंवत भोंवत आठवे फावट मुंबय पावल्या. 21व्या शेकड्यांत अजूनय कोंकणी भास आनी अस्मिताय फुलता-फळटा हें मुंबयच्या ''आमी गोंयकार'' हे संस्थेन सगल्यांक दाखोवन दिलां. हे संस्थेचो मोलादीक वावर मुंबयच्या कोंकणी लोकांक खबर आसा. अठ्ठाविसावे अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचो भार घेवपी आनी व्हड दबाज्यान परिशद येसस्वी करून दाखोवपी म्हूण ''आमी गोंयकार'' हे संस्थेची आतां कोंकणी लोकां मदीं चड नामना जातली.

2006 ह्या वर्सा पणजे जाल्ल्या 25व्या अधिवेशनांत अध्यक्ष पॉल मोरास हांणी परिशदेचीं उद्दिश्टां आनी त्या वर्सा मेरेन परिशदेन केल्लो प्रवास हांचो नियाळ घेतलो. 1939 वर्सा कारवारा जाल्ल्या पयल्या अधिवेशनांत माधव मंजुनाथ शणै शानभाग हांणी परिशदेक चार उद्दिश्टां आसचीं अशें सुचयिल्ले. थोड्याच उतरांनी सांगपाचें म्हणल्यार एक भास, एक लिपी, एक साहित्य आनी एक समाज अशीं तीं उद्दिश्टां आसलीं. हीं उद्दिश्टां साध्य करपाक कर्नाटक, महाराष्ट्र, केरळ आनी गोंय ह्या राज्यांनी आयज मेरेन लोकांक कितलें येस आयलां कसले प्रस्न उरल्यात आनी हाचे फुडें कसलें कार्य करपाचें आसा ह्या सगल्यांचो नियाळ करत आमकां रावचें पडटलें. कोकणी राजभास आशिल्ले. भारतातलें गोंय हेंच एकच राज्य. देखून गोंयचो नियाळ चड खोलायेन करचो पडटलो.

भास

भास आनी संस्कृताय हांची राखण आनी उदरगत करपाक सरकारी आश्रय खूब म्हत्वाचो आसता. गोंयचें वेगळें राज्य जांवचें आनी त्या वेगळ्या राज्यात कोंकणी ही राजभास आसची हीं वयले वयर पळयल्यार दोन उद्दिश्टां कशीं दिसतलीं. पूण खरेपणी समजूंक गेल्यार हे एकच उद्दिश्ट. कारण, भाशेचेर आदारून राज्यांची रचणूक जातकच आपणालें वेगळें राज्य आसले बगर भाशेची आनी ते भाशे वरवी समाजाची उदरगत जावची ना हें भारतांतल्या सगल्या वाठारांतल्या लोकांक दिसता. तशेंच गोंयच्याय लोकांक दिसलें आनी गोंयकारांनी झुजून गोंया खातीर वेगळें राज्य मागून घेतलें. कोंकणी ही थंयची राजभास केली. गोंय महाराष्ट्रांत विलीन जाल्लें जाल्यार कोंकणी अस्मिताय आनी संस्कृताय इतली फुलतली आनी फळटली आसली काय ना हो प्रस्न दर एकल्याच्या मनांत येवं येता. राजाश्रया इतलोच लोकांचो भाशे वयलो मोग आनी भाशे वरवीं संस्कृताय आनी अस्मिताय घट करपाची जिद्द ह्योय गजाली म्हत्वाच्यो आसतात. ते नदरेन पळयल्यार कोंकणींतल्यान उलोंवंक आनी बरोवंक पयलीं पयलीं लजपी लोक आयज अभिमानान कोंकणी उलयतात. वाचतात आनी बरयतात. एका काळार गोंयात माचये वयल्यान मराठी आनी माचये सकयल कोंकणी उलोवपाची गोंयच्या हिंदूंक संवय आशिल्ली. पूण आजय सगले कडेन माचेयर आनी माचये सकयल राजकी, समाजीक आनी साहित्यीक फुडारी कोंकणी उलयतात. केरळ, तामिळनाडू, कर्नाटक, उत्तर भारत हांगाच्यान पोट भरपा खातीर येवपी मेस्त, प्लंबर, पेण्टर, भाजी आनी फळां विकपी हे सगले कोंकणी शिकतात आनी गोंयकारां कडेन कोंकणी उलयतात. गेल्ल्या धा वर्सांत गोंयांत टी.व्ही. चॅनल सुरू जाल्यात. गोवा न्यूज़लायन गोंयचे पयलें खबरां चॅनल कोंकणीतल्यान सुरू जालें. मागीर सुरू जाल्ले प्रुडंट मिडीया, गोवा 365 आनी हेर

चॅनल मुखेलपणान कोंकणींतल्यान कार्यक्रम चलयतात. गोंयचे विधानसभेंत चड भासाभास कोंकणींतल्यान, आनी कांय इंग्लिशींतल्यान जाता. गोंय स्वतंत्र जावचे पयलीं मांडो, कांतार हें संगीत गोंयचे थळावे विशय घेवन जल्मलें तरी पोर्तुगेज सरकाराच्या पाख्या खाला ख्रिश्चन समाजान ह्या संगिताक अस्तंती चाली लावन एक वेगळे तरेचें खाशेलें संगीत ह्या जगांत हाडलें. हाच्या उरफाटें, हिंदू समाजांतलें कोंकणी संगीत भारतीय चालींनी, म्हणल्यार हिंदुस्तानी शास्त्रीय संगिताचेर निंबून आशिल्ल्या चालींचेर चलतालें. गोंयचें हालींचे कोंकणी संगीत कांतार आनी गीत हांचे मदली वाट काडून भारतीय सूर आनी चाली अस्तंतेच्या तालाचेर फुलता आनी फळटा. भाशेची उदरगत वाडची म्हूण गोवा कोंकणी अकादेमी आनी गोंयचें कोंकणी भाशा मंडळ आपले परीन वेगळ्यो येवजण्यो सूरू करतात. गोंय सरकाराच्या राजभास विभागात विभागांत विंगड विंगड उतरावळी तयार करपाचें काम चल्लां. सरकारी कामां खातीर प्रशासकी उतरावळ, कायदे, नेम आनी न्यायीक बांदावळींत लागपी उतरावळ, पंचायत राज्यांत लागपी उतरावळ अश्यो तरातरांच्यो उतरावळी हातूंत आसापावतात. तशेंच सरकारी अधिकाऱ्यांक आनी कर्मचाऱ्यांक कोंकणींतल्यान प्रशासन चलोवपा खातीर प्रशिक्षण दिवपाची येवजणय सरकारा मुखार आसा. सरकारी कचेऱ्यांनी हेर भासां वांगडा कोंकणींतल्यान बोर्ड आसचे, रस्त्याचेर गांवाच्या नावाचे बोर्ड कोंकणीतल्यान आसचे, सरकरी आमंत्रण कोंकणीतल्यान छापची आनी पुलीस स्टेशनांनी कागाळी कोंकणीतल्यान बरोवन घेवच्यो अशें गोंय सरकारान 2010 वर्सा आदेश काडले. कोंकणीच्या मळार वावुरपी म्हालगड्यांनी सरकारा फाटल्यान लागून राजभास कायदो विभागांत हें काम सुरू केलां आनी कळाव लागनासता तें काम तडीक व्हरूंक दीसरात वावुरतात.

गोंय स्वतंत्र जावन 50 वर्सा जालीं, पोरूं म्हणल्यार 2011 वर्सा गोंय सरकारान गोंयचे स्वतंत्रतायेचें भांगरा उत्सवी वर्स मनयलें. पूण ह्या 50 वर्सात कोंकणीचें कार्य जालां ताचे परस खूब जावपाचें उरलां अशेंच म्हणचें पडटलें.

गोंयचो ख्रिश्चन समाज कोंकणी परस इंग्लीश आनी हिंदू समाज कोंकणी परस मराठी चड वाचता हें मानचें पडटलें. गोंय धरून हेर कडेन उजवाडा येवपी आनी फक्त गोंयांतच उजवाडा येवपी अशीं 6 मराठी दिसाळीं गोंयांत आसात. देवनागरी लिपींतलें फक्त एकच कोंकणी दिसाळें आसा. गोंयच्या ख्रिश्चन समाजाचे फुडारी जरी कोंकणी अस्मिताय (आयडँटिटी) कोंकणी भास, रोमी लिपी ह्या उतरांचो वापर राजकी उद्दिश्टां सादपा खातीर करता. तरी पूण गोंयात रोमी लिपयेंत एक लेगीत कोंकणी दिसाळें ना. इतिहास काळांतल्यो संवयो सोपेपणान पयसावनात. त्यो ल्हवू ल्हवू ना करून नव्यो संवयो लावन घेवंक नवे विचार. प्रशिक्षण, सुविधा आनी हेर नव्यो गजाली आसच्यो पडटात. गोयांत अजूनय कोंकणी वाचूंक आपणास कुस्तार पडटा, कोंकणी आपणाच्यान वाचूंक नज, अशें म्हणपाक कोणाक लज दिसना. ख्रिश्चन समाजांतले चडशे ''वयल्या पांवड्या'' वयले शिकिल्ले सवरिल्ले लोक कोंकणींतल्यान प्रस्न विचारल्यार इंग्लिशींतल्यान जापो दितात.

लग्नां, मुंजी आनी हेर सुवाळ्यांचीं आमंत्रणां कोंकणीतल्यान वाडट्या प्रमाणांत जातात. तरीय चडशीं आमंत्रणां इंग्लिशींतल्यान आनी मराठींतल्यान जातात हें आमकां मानचें पडटलें. कोंकणी चळवळींतल्या म्हालगड्यांच्या चेपणाक लागून सरकारान राजभाशेतल्यान सरकारी कारभार चलोवपा खातीर काय सुरवातीचीं पावलां उखल्ल्यांत तरीय वण्टीचेर फ्रेमींत घालून हुमकळायिल्लो कोंकणीचो राजभास कायदो सरकारी फायलींनी हाडपाक आनी दीसपट्ट्या प्रशासनाक लागू करपाक सरकार फाटीं फुडें जाता आनी कानार केंस ओडटा. गोंय स्वतंत्र जावन ५० वर्सा जालीं तरी गोंय सरकाराचो राजभास वठारांतलो आळस आनी शुन्य कामगीरी पळोवन गोंयकारांक लज दिसपाची, पूण तांकायं बी आतां सरकारी सुसेगादपणाची संवय जाल्या काय दिसता.

कोंकणी भाशेच्या मळार आनीक एक व्हड अपेस म्हणल्यार कोंकणीतल्यान मुळावें शिक्षण नासप. गोंय स्वतंत्र जावचे पयलीं गोंयांत सुमार 300 मराठी शाळा आशिल्ल्यो. मागीर तळागाळांतले लोक शिकून वयर येवचे म्हूण ''महाराष्ट्रवादी गोमंतक'' पक्षाच्या सरकारान गोंयच्या सगल्या खांची-गोयंड्यांनी मराठी शाळा सुरू करून मराठी शाळांचो आकडो 900 चेर व्हेलो. कोंकणी मुळावें शिक्षण गोंय स्वतंत्र जातकच सुरू जालें. पूण सरकारान कोंकणीतल्या मुळाव्या शिक्षणाक इल्लेंय म्हत्व दिवंक ना. हाचे उरफाटे इंग्लीश मुळाव्या शिक्षणाक (अनुदान नासतना) मान्यताय

दिली आनी इंग्लीश मुळाव्या शाळांचो आंकडो वाडत गेलो. सरकार फक्त कोंकणी, मराठी आनी हेर भारतीय भाशांतल्या मुळाव्या शाळांक अनुदान दिता म्हूण 1990-91त डायोसेशन सोसायटींतल्या स्कूलांनी कोंकणीतल्यान मुळाव्या शिक्षणाक सुरूवात केली. डायोसेशन सोसायटीन हीं स्कुलां जरी सरकारी पयसो मेळचो म्हूण कोंकणीतल्यान चलयिल्लीं, तरी आसतना कोंकणीतल्यान आनी तींय बी देवनागरी कोंकणीतल्यान आपली भुरगीं शिकतात म्हूण खूबश्या आवय-बापायंक केन्नाच खोस जाली ना काय दिसता. देखून परतून परतून सरकारान इंग्लिशींतल्यान चलपी मुळाव्या शाळांक अनुदान दिवचें हे खातीर ख्रिश्चन समाज चळवळी करीत आयला. इंग्लिशींतल्यान शिकयतल्या मुळाव्या शाळांकय बी सरकारी अनुदान दिवचें अशें गोंय सरकारान थारायलें आनी 2011 जूनांत तशें एक परिपत्रकय काडलें. पूण सरकारचो हा थाराव गोंय हायकोर्टान आडायिल्ल्यान गोंय सरकाराची येवजण फुडें सरूंक पावली ना. इंग्लिशींतल्यान मुळाव्या शिक्षणाक, कांय उत्तर-उदेंत राज्यांनी सोडल्यार, भारतांत खंयच सरकारी अनुदान मेळना. राजकारणी सुवार्था खातीर गोंय सराकाराची ही येवजण चालीक लागल्यार कांय काळा भितर गोंयच्यान कोंकणी आनी मराठी शिक्षण ना जातलें, आनी गोंयचीं भुरगीं के.जी. साकूनच इंग्लिशींतल्यान शिकपाक लागलीं जाल्यार भारतीय संस्कृतायेंतल्यान भायरीं जातलीं, असो भंय गोंयकार हिंदूक दिसपाक लागलो. ह्या भंयातल्यान, कोंकणी, मराठी आनी हेर भारतीय भाशांतल्या शिक्षणाची राखण करूंक जाय ही जाणविकाय गोंयच्या हिंदू भौसांत पातळ्ळी. हे खातीर गोंयची आदली मुखेलमंत्री श्रीमती शशिकला काकोडकार हांचे अध्यक्षताये खाला ''भारतीय भाशा सुरक्षा मंच'' स्थापन जालो.

गोंयात कोंकणी मुळाव्यो शाळा वाडल्यो नात हांचे आनीक एक कारण म्हणल्यार, कोंकणी चळवळींत वांटो घेतिल्ल्या लेखक, साहित्यीक, राजकारणी आनी समाजसेवक आनी हेर कार्यकर्त्यांनी ताचेर दिवपाक जाय तितले ध्यान दिलें ना. कोंकणी साहित्याची दर्जो आनी पुस्तकांचो आंकडो वाडचो म्हूण चड प्रयत्न जाले. लोकां मदीं कोंकणी मुळाव्या शिक्षणाच्या गरजेची जाणविकाय पातळावपाक कोंकणी चळवळींतल्या कार्याक येस आयलें ना.

कोंकणीच्या फुडाराचे नदरेन गोंयांत आनीक दोन बऱ्यो गजाली घडल्यो. पयली गजार म्हणल्यार तिकेटी विकत घेवन लोक कोंकणी नाटकां पळोवंक येवंक लागले. पुंडलीक नायक हांणी बरयिल्लीं नाटकां राजदीप नायक आनी ताच्या सांगात्यांनी मायचेर हाडलीं आनी तांचे प्रयोग गोंयांत सगले कडेन जावंक लागले. मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम ह्या विशयाचेर पुंडलीक नायक हांणी बरयिल्लें ''फिरंगी फटास'' ह्या नाटकाचे गोंयात फाटल्या स म्हयन्यांत पन्नासां वयर प्रयोग जाले. आनी हे सगले प्रयोग लोकांनी स्पॉन्सर केले.

दुसरी गजाल घडली ती आधुनिक तंत्रज्ञाना वरवीं तरणाट्यांनी केल्ली चळवळ. कोंकणीचें रक्षण करूंक युगांक नायक ह्या तरनाट्यान ''दिगंबर कामत, गॅट वॅल सून'' (दिगंबर कामत, बेगीत बरो जा) हो ग्रूप ''फेसबुकाचेर सुरू केलो आनी गोंयचे 3 हजारा वयर तरनाटे ह्या ग्रुपचे वांगडी जाले. कोंकणी खातीर चलत आयिल्ले चळवळीत हो ग्रूप खूब मोलादीक वावर करत आसा.

कोंकणी भास आनी अस्मिताय फुलची आनी फळची म्हूण गोंयांतले भशेन कर्नाटकांत आनी केरळांत लेगीत खूब वावर चल्ला. मंगळूरूचें कोंकणी भाशा मंडळ, सरकारी अनुदानान स्थापन जाल्ली. कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकादेमी आनी बस्ती वामन शणै हांच्या प्रयत्नांक लागून स्थापन जाल्लें विश्व कोंकणी केंद्र ह्यो संस्था कोंकणीच्या मळार मोलादीक वावर करीत आयल्यात. कोंकणी हो विशय सव्या वर्गा साकून भुरग्यांक एक ''तिसरी भास'' म्हूण शिकूं येता, आनी देवनागरी आनी कानडी ह्या दोनूय लिपींतल्यान ती शिकूं येता. कर्नाटक सरकार कोंकणी साहित्य अकादेमी खातीर दर वर्सा 50 लाख अनुदान दिता. ह्या अनुदानांतल्यान सबंद राज्यांत कोंकणी भाशेच्यो आनी संस्कृतायेच्यो वेगवेगळ्यो कार्यावळी जातात.

कर्नाटकांत देवनागरी कोंकणी बरोवचे परस कानडी लिपींतल्यान चड बरयतात. कानडी लिपींतल्यान कोंकणी बरोवपी लेखकांनी बऱ्या दर्ज्याच्या साहित्याची निर्मिती केल्या. कोंकणी परिशदेच्या उद्दिश्टां प्रमाण कोंकणी भाशेची उदरगत फुडाराक एकेच लिपींतल्यान जावंक जाय आनी ती देवनागरींतल्यान जांवक जाय हे खातीर कोंकणी संस्थांनी यत्न करचे पडटले. गोंय सरकार रोमींतल्यान, कर्नाटक सरकार कानडींतल्यान आनी केरळ सरकार

मल्ल्याळमांतल्यान कोंकणी बरोवची न्हय अशें केन्नाच म्हणचें ना हें आमी ध्यानांत दवरूंक जाय.

केरळांत कोंकणी समाज उणो आसा. पूण कोंकणी लोकांचो आंकडो उणो आसल्यार लेगीत थंय कोंकणीचे काम व्हड प्रेमान आनी जिद्दीन चल्लां. 50-60 वर्सा पयलीं पुरूषोत्तम मल्ल्यान थंय ''कोंकणी प्रचार सभा'' सुरू केल्ली. मागीर कांय काळान पी. जी. कामत हांच्या फुडारपणा खाला कोंकणी साहित्य अकादेमी सुरू जाली आनी ते अकादेमीच्या पावलान जायते बऱ्या दर्ज्याचे लेखक आमचे मुखार आयले. केरळ सरकारान फुडल्या वर्साच्यान केरळ कोंकणी साहित्य अकादेमी सुरू करपाचें थारायलां. सरकारी पाख्या खाला कोंकणीच्यो कार्यावळी सुरू जातकच त्या राज्यांत कोंकणीची उदरगत चड बेगीन जातली हातूंत दुवाब ना. एके गजालीची आमी तोखणाय करपाक जाय म्हण्टा ती, केरळांत सरकारी अनुदानान थोड्यो कोंकणी मुळाव्यो शाळा गेल्लीं खूबशीं वर्सां चलतात.

कोंकणी परिशद कोंकणी भाशे खातीर आनी समाजा खातीर आपले तांकी प्रमाण थोंडेभोव कार्य चारूय राज्यांनी करीत आसा. कोंकणी मुळाव्या शिक्षणाचो कोंकणी लोकां मदीं प्रचार करपाच्या कार्यांत परिशदेन आयज मेरेन व्हडलोसो वांटो घेवंक ना अशें म्हाका दिसता. हाचीं खूब कारणां आसुये. परिशद जरी 1939 वर्सा जल्मली तरी दोन अधिवेशनां मदीं वेगळ्या राज्यांनी खुबश्यो कार्यावळी जातात अशें समजता. भारतातंत आनी हेर कडेन कोंकणी भाशीक लोक खूब व्हड कोंकणींतल्यान मुळावें शिकप घेवपाच्यो सुविधा तयार करूंक जाय. हें काम गोंयात पयलीं सुरू जांवक जाय हांतूंत दुबाव ना.

लिपी

पुर्तुगेज राजकर्त्यांनी कॅथोलिक पाद्रयांकडेन हातमेळवणी करून कोंकणीचेर आनी गोंयच्या भौसाचेर जे अत्याचार केले तांतूतल्यान लिपीचो प्रस्न उप्रासलो. पुर्तुगेजांक भारत सरकारान धांवडायले पूण भारत सरकार जांव, गोंय सरकार जांव, समजाच्या फुडाराचे नदरेन लिपीच्या प्रस्नाचेर उपाय सोदून काडपाक ह्या सरकारांनी कायंच पावलां उखलूंक नात. पुर्तुगेजांनी गोंयांत रोमी लिपी सोडून मंगळूर वाठारांत स्थायीक जाल्ल्या ख्रिश्चन लोकांनी कोंकणी खातीर कानडी लिपी आपणायली. केरळांत पाविल्ल्या लोकांनी मल्ल्याळम आपणायली. देवनागरी, रोमी आनी कानडी ह्यो लिपी आयज आमी मुखेलपणान वापरतात. कोंकणी ही इंडो – आर्यन भास संस्कृत भाशेंतल्यान सुमार हजार वर्सां पयलीं जल्मल्यान कोंकणीची लिपी देवनागरी अशें सभावीकपणान म्हणचें पडटलें. इतिहासीक कारणाक लागून जाल्लें बदल रातयांत ना जायनात, देखून देवनागरी वांगडाच रोमी आनी कानडी लिपी आयज आमी वापरतात. 1939 वर्सा कारवारा जाल्ले पयले परिशदेन कोंकणीक एकूच लिपी आसूंक जाय, आनी ती म्हणल्यार देवनागरी हें तत्व चारुय राज्यांतल्या कोंकणी समाजाक सांगले. पूण अजून मेरेन तें तत्व चालीक लावंक कोंकणी भौसाक व्हडलेंशें येस मेळूंक ना, आयज एके लिपींतलें लिखाण दुसरें लिपींत बरयतल्या लोकांक वाचूंक मेळना. हो प्रस्न ट्रान्सीलीटरेट (म्हणजे कंप्युटर सॉप्टवॅर वापरुन एके लिपयेंतल्यान दुसरे लिपयेंत बदलपाची प्रक्रिया) करून सुटूंक शकता. ही प्रक्रिया वापरुंक मेळटा. तशेंच एकें भाशेंतल्या लिखाणाचो दुसरे भाशेंत अणकार करपाक इलॅक्ट्रॉनीक सॉफ्टवॅर तयार करपाची प्रक्रिया भारत सरकारच्या पाख्या खाला खूशबे कडेन चालु आसा. कोंकणी खातीर गोंय युनिवर्सिटीच्या कंप्युटर विभागांत काम चालू आसा. कोंकणी साहित्य आनी हेर लिखाण वाडपाक ह्या तंत्रगिन्यानाची खूब मजत जातली.

कंप्युटराच्या जगांत फकत रोमी लिपीच चलता आनी देखून देवनागरी वा हेर भारतीय लिपींनी बरयिल्ल्यो भासो आपले आपून ना जातल्यो असो फटीचो प्रचार कांय इंग्लीशधार्जिणे आपमतलबी लोक करताले. कंप्युटराचें तंत्रगिन्यान हें अमके भाशे खातीर वापरुं येता आनी हेर भाशां खातीर वापरुं येना अशें केन्नाच नाशिल्लें. चीनी, रशियी, जपानी अनी हेर कितलेशेच देश आपणाले भाशेंत आनी आपणाले लिपींत कंप्युटर तंत्रगिन्यानाचो वापर करतात. विकिपिडीया हो संवसारांतलो सगल्यांत व्हडलो विश्वकोश जगांतल्या 267 भासांनी मेळटा. गुगल हें 'सर्च इंजिन' भारतांतल्या आठ भासांनी मेळटा. फेसबुकाचेर आयची तरनाटी पिळगी कोंकणींतल्यान बरयता तें वाचून कोंकणी कंप्युटरांत पावली म्हूण हड्डें अभिमानान फुलता. कोंकणी पयलीं बैलगाड्यांत बशिल्ली, मागीर सायकलीचेर, मागीर मोटारसायकलीचेर, मागीर मोटारींत, मागीर विमानांत आनी

आता कंप्युटरातं बसुन प्रवास करतली अशें रवीन्द्र केळेकारान एक फावट आपणाल्या उलोवपांत म्हणिल्लें.

लिपीच्या प्रस्नांत खूबशे तंत्रगिन्यानी संशोधन जावंक जाय. सध्या चडश्यो पद्धती आसात त्यो इंग्लीश ''की बोर्डा'' वयल्यान देवनागरी टायप करपाच्यो अश्यो आसात. कोंकणींतले खासा उच्चार आसपावन देवनागरी ''की बोर्ड'' तयार करपाची गरज आसा. हाचेर संशोधन करपाक गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ सरकारन पयसो मोडूंक जाय आनी कोंकणीचे उच्चार आशिल्लें ''की-बोर्डा''च कंप्युटर, अनुदान दिवन सवाय भितर लोकांक विकपाची तजवीज करपाक जाय.

लिपीचो प्रस्न तंत्रगिन्यानाक लागून आपले आपूण सुट्टलो अशें म्हणपांत अर्थ ना. राजकारणाक लागून हो प्रस्न बिकट जाला. देवनागरी लिपी ही भारतांतली सगल्यांत पोरणी आनी भारतांतलो सगल्यांत व्हड जनसमुदाय वापरीत आयिल्ली लिपी. खंयचेय भाशेक आपणाली खासा लिपी आसतना परकी लिपी आपणावपाचो हट्ट धरप म्हणल्यार भारतीयांच्या स्वाभिमाना आड केल्लो हट्ट. ब्रिटीशांनी भारतांत सगले कडेन बदलिल्लीं थळावीं नांवां आतां थळावीं सरकारां मूळ रुपांत हाडाटात. देखीक – बॉम्बे मुंबई जालें, पुना पुणे जालें, त्रिवेंड्रम तिरूअनंतपुरम, उटी उदकमंडलाम, कलकत्ता कोलकात्ता, त्रिचीनोपल्ली तिरुचिरापल्ली. मंगलोर मंगळूर, बेंगलोर बंगळूर, कॅलिकट कोझिकोड अशीं खूब नांवां बदलल्यांत ब्रिटीशांनी दिल्लें आमी जर स्वाभिमाना खातीर बदलूंक शकतात जाल्यार पुर्तुगेजांनी दिल्लें कित्याक बदलूंक शकनात? धर्म बदल्लो म्हूण संस्कृताय आनी दायज बदलपाची गरज ना हें भारतीय ख्रिश्चनांनी सिध्द केलां. भारतांत सुमार तीन कोटी ख्रिश्चन आसात. सगले ख्रिश्चन लोक आपलो धर्म सांबाळून थळाव्या भाशां वरवीं, थळाव्या संस्कृातायां वरवीं आपल्या समाजाची उदरगत करतात. गोंयांत मात वेगळी तरा. गोंयचे कॅथोलिक अजूनय रोमी लिपीचो आनी इंग्लिशीचो हट्ट धरतात. गोंयचे राजकारणी कॅथोलिक ''वोट – बॅकां'' खातीर ह्या हट्टा मुखार बागवतात. रोमी लिपीचो आनी इंग्लीश मुळाव्या शिक्षणाचो हो हट्ट गोंयचे अस्मितायेचोच (आयडॅटिटी) एक वांटो अशें गोंयचे कॅथोलिक फुडारी आनी राजकारणी मानतात. हो तांचो राष्ट्रविरोधी हट्ट गोंय आनी भारत सरकारन आयकून घेवंक जायना आनी भारतांत आशिल्ली सांस्कृतीक विविधताय हें भारतीय संस्कृतायचेंच आनी गोंयच्या विंगड विंगड संस्थांनी गोंय आनी भारत सरकारचेर चेपन हाडून हें कोंकणीचे मानेचेर बशिल्लें रोमीचें भूत काडून उडोवंक जाय.

भारतांतलीं चडशीं भुरगीं आतां हिंदी शिकतात अनी देखून तांकां देवनागरी लिपी येता. कानडी लिपींतलें कोंकणी लिखाण आर्विल्लें तंत्रज्ञान वापरुन देवनागरी लिपयेंत बरोवपाक भुरग्यांक फुडें काडूंक जाय. ह्या कामांत परिशदेन खूब वावर करचो पडटलो.

साहित्य

कोंकणी साहित्य आयज मुखेलपणान चार कडेन फाफुडलां. गोंयांत देवनागरी आनी रोमन लिपींत बरयिल्लें, तशेंच कर्नाटकांत हिंदू कोंकणी लोकांनी देवनागरी आनी ख्रिश्चन लोकांनी कानडी बरयिल्लें ! तातूंत देवनागरी लिपींत बरयिल्ल्या साहित्याचो आंकडो सगळ्यांत चड आसा काय दिसता. कोंकणींत वेगवेगळ्या लिपींनी दर वर्सां कितली पुस्तकां उजवाडाक येतात हाचो हिशोब खंयचोच सरकार दवरिना आनी कोंकणीच्या मळार वावर करपी संस्थाय बी दवरिनात. हो वावर सुरु जातकच खंयचे लिपींत कितलीं पुस्तकां भायर सरल्यांत हें कोंकणी वाचप्याक कळटलें. जो मेरेन कंप्युटर तंत्रगिन्यान वापरुन लिपी बदलपाचें आनी अणकार करपाचें सोंपेपण आमच्या हाताक लागना तो मेरेन परिशदेन जाता तितलो फुडाकार घेवन लिप्यांतराचें आनी भाशांतराचें काम फुडें व्हरपाची गरज आसा.

कोंकणी साहित्या मुखार तीन मूखेल प्रस्न आसात. पयलो प्रस्न म्हणल्यार कोंकणी भाशीक भौस भारतांतल्या हेर भौसा परस खूब उणो आसा. आमी जरी भारतांत सुमार ५० लाख लोक कोंकणी उलयतात अशें म्हणलें तरी भारत सरकारचे जनगणने प्रमाण ते 20 लाखां परस चड ना अशें कळटा. लाखांनी कोंकणी लोक ज्या राज्यात रावतात त्या राज्याची भास ही आपली आवय भास ही आपली भास म्हूण सांगतात. देखून कोंकणी उलोवप्यांचो खरो आंकडो लिपून उरता जावयें.

दुसरो प्रस्न म्हणल्यार कोंकणी उलोवपी उणे, ताचे परसय वाचपी उणे. आनी ताका लागून कोंकणीचें ''मार्केट'' सामकें ल्हान ! अजापाची गजाल म्हणल्यार व्हड व्हड

भासांतले नामनेचे कवी साहित्यीक आपणाल्या पुस्तकांच्यो पयलो फावट फकत एक हजार प्रती काडटात वा पुस्तक जडगुळो विचारांचे आनी कठीण आसल्यार 500-600 प्रती छापतात. कोंकणी लेखक आनी साहित्यीकय बी एक हजार वा 500-600 प्रती काडटात. गोंयांत, मुंबयंत वा मंगळुरुंत सादारण पुस्तकांच्या दुकानांनी कोंकणी पुस्तकां विकूंक दवरिनात. कारण खप उणो जाता आनी जागो आडावन उरता. गोंय स्वतंत्र जावन 50 वर्सा जालीं तर ''कोंकणी पुस्तकां खंय मेळटात?'' अशें कोणेंय विचारतकच लज दिसता. कोंकणीच्या मळार परिशदे इतली व्हड अनी पोरणी दुसरी संस्था ना. मुंबय, मुंगळूर, गोंय, केरळ हांगा कोंकणीच्या मळा वयल्यो जायत्यो संस्था परिशदेनच सुरु केल्यात. परिशदेक सरकारी अनुदान मेळना. हेर कांय संस्थाक मेळटा. पूण लिपी, भाशांतर, मार्केटींग, तंत्रगिन्यान आनी संशोधन ह्या विशयांचेर ह्या संस्थांचें व्हडलेंशे काम जायना. देखून परिशदेन वेगवेगळ्या राज्यांतल्यान सरकारी मजतीन कोंकणीचें मार्केटिंग वाडोवपाचो यत्न करुंक जाय. हे खातीर वेगळ्या घटक्यां मदीं भासाभास, संपर्क आनी कार्य वाडोवंक जाय.

तिसरो प्रस्न कोंकणींत कथा आनी कविता चड आसात. कादंबरी, एकांकिका, दोन अंकी नाटकां आनी तरातरांच्या विशयां वयलें वैचारीक साहित्य उणें आसा जें उणे आसा तें चड करपा खातीर परिशदेन हेर संस्थां कडेन संपर्क सादून हें साहित्य वाडोवपाक अर्थीक येवजण्यो सुरु करच्यो पडटल्यो.

विंगड विंगड लिपींतल्यान कोंकणी बरयिल्ल्यान आनी हेर लिपींतलें साहित्य वाचपाची संवय नाशिल्ल्यान कोंकणी साहित्याचें मार्केट सभावीकपणान उणें जाता. वेगळे वेगळे लिपींतल्यान बरयिल्लें आनी वेगळे वेगळे शैलींत उलयिल्लें कोंकणी साहित्य एके लिपींत बरयल्यार सगल्यांक बेस बरे समजूं येता हें परिशदेच्या अध्यक्षांची देवनागरींतल्यान छापिल्लीं भाशणां वाचून कळटा. जे. बी मोरायश, पॉल मोरास, बस्ती वामन शणै, शांताराम. पुंडलीक नायक, उदय भेंब्रे, तानाजी हळर्णकर हांचीं देवनागरींतल्यान छापिल्लीं भाशणां वाचतकच एकेच लिपींत बरयल्यार समजूपाक सोंपें जाता आनी मार्केट वाडूं येता हें सत्य रोखडेंच होलमता. जो मेरेन एके लिपींतल्यान कोंकणीतलें सगलें साहित्य येना तो मेरेन एक उपाय म्हणल्यार ऑडियो – पुस्तकां तयार करप, आनी भारतांत आनी हेर कडेन ज्यो वेबसायट आसात तांचे वरवीं हीं ऑडियो पुस्तकां विकपाची तजवीज करप. कोंकणीतल्यान सांगिल्ली काणी आयकता आसतना थय लिपीचो प्रस्न येना. भारतांतल्या आनी हेर कडल्या मुखेल पुस्तकांच्यो ऑडिआ–सीडी आतां मेळूंक लागल्यात. द इकॉनॉमिस्ट हें जगभर नामना जाल्लें नेमाळें ऑडियो रुपांत आयकूंक मेळटा. तशेंच 2008 वर्साच्या अर्थीक मंदी उपारांत अमेरिकेन त्या विशयाचेर उजवाडायिल्लीं पुस्तकां चडशीं ऑडियो रुपांत मेळटात.

समाज

विंगड विंगड धर्म आनी राज्यां हातूंत कोंकणी समाज शिंपडिल्लो आसा. साहित्य, लिपी आनी भाशीक जाणविकाय आसली म्हूण हे सगळे कोंकणी लोक एकठांय येतले, एके लिपींत, एके भाशेंत आपणाक बांदून घेतले आनी सगल्या घटकांची संस्कृताय एकरुप करपाचों यत्न करतले अशें येवजप सोंपें पूण तें जावप कुस्तार व्हड व्हड शिकिल्ले लोक जे परदेशांत स्थायीक जावन 50-60 वर्सां उपरांत अजूनय घरांत कोंकणी उलयतात आनी भुरग्यांक कोंकणी शिकोवपाचो यत्न करतात ते कोंकणी समाज एकरूप जावचो म्हूण कांयच यत्न करिनात. कॅनडा, गल्फ, इंग्लंड, ऑस्ट्रेलिया आनी हेर कडेन शिंपडिल्ले गोंयकार चडशे ख्रिश्चन आनी इंग्लीश उलोवपी, पूण आवय भास कोंकणी म्हूण अभिमानान सांगपी ! अमेरिकेंत आशिल्ल्या गोंयकार किरिस्तांवांची वेगळी, गोंयकार हिदूंची वेगळी आनी मंगळूरी हिंदूची वेगळी अश्यो तीन कोंकणी संघटना आसात अशें समजता. एकमेका मदीं संपर्क ना आनी तो सुरु करपाचो कोणाचो यत्नय बी ना.

भास म्हणल्यार विचार उक्तावपाचें, एकामेकां कडेन उलोवपाचें आनी भौसा कडेन संपर्क सादपाचें साधन. कोंकणी समाज संघटीत जातलो जाल्यार तो त्या समाजाचे भाशे वरवींच जावपाक जाय आनी एक लिपी आसले बगर ते भाशे वरवीं तो समाज एकरुप जावंक शकचो ना. लिपीचे आनी भाशेचे प्रस्न सोडयतकच कोंकणी समाजाचो एकवट, संस्कृताय, अस्मिताय हांच्या मुखार आशिल्ले प्रस्न उणे जातले.

कोंकणीचो फुडार

आयच्या जागतिकीकरण (ग्लोबलायझेशन) युगांत

इंग्लिशीची गरज आशिल्लयान जगांतले सगले लोक भराभर इंग्लीश शिकूंक लागल्यात आनी ताका लागून ल्हान ल्हान भाशांची एक तर उदरगत जावची ना वा त्यो मरून वतल्यो, अशें खूबश्या लोकांक दिसता. हो विचार सामको चुकिचो.

जागतिकीकरणाच्या म्हणल्यार फकत अर्थीक जागतिकीकरण, भाशीक आनी सांस्कृतीक जागतिकीकरण न्हय, फ्रान्स, जर्मनी, इटली, चीन, जपान, रशिया, भारत आनी हेर देशांनी आयज जी उदरगत केल्या ती आपापणाल्या भाशेंतल्यान आनी संस्कृतायेंतल्यान ! चीन आयज अमेरिके फाटोफाट जगांतलो दुसरो बळिश्ट देश अशें आमी मानतात. थंय सगळो कारभार चीनी भाशेंत चलता. इतलेंच न्हय तर 30-40 कोटी इंटरनॅट वापरपी लोक सगळे चीनी भाशेंतल्यान इंटरनॅटाचो उपेग करतात. अर्थीक नदरेन भारत हें जगांतलें चवथें बळिश्ट राष्ट्र अशें मानतात. हाका आनी इंग्लीश भाशेक संबंदच ना कारण भारतांत फकत 10 प्रतिशें लोक इंग्लिश वापरतात आनी इंग्लिशींतल्यान कारभार चलयतात. जपानी आनी चीनी अर्थ व्यवस्था चडशी नियततीचेर जागतिकीकरणाचो परिणाम तांचेर चड जाता. पूण तांच्या भाशांचेर आनी संस्कृतायांचेर कांयच परिणाम जावंक ना. भारताची अर्थव्यवस्था अजून मेरेन फकत 20 प्रतिशें निर्यातीचेर निंबून आसा. देखून जागतिकीकरणाचो परिणाम भारताचेर व्हडलोसो जायना. 2008 त जाल्ले अर्थीक मंदीचो मार भारताक चड बसूंक ना हाचें हें एक मुखेल कारण.

जगांतल्या 30 मुखेल भाशां मदीं भारतांतल्या आठ भासांचो आसपाव जाता.

अमेरिका आनी हेर इंग्लीश उलोवपी राष्ट्रांक काल मेरेन आशिल्ली तशीच फुडाराकय बी अर्थीक तांक आसतली. ह्या बुन्यादी विचाराचेर फुडाराक सगल्या जगाक इंग्लीश शिकची पडटली हो विचार आधरिल्लो असा. २१व्या शेंकड्यांत जगाची अर्थीक उदरगत चीनाचेर निंबून आसतली, अस्तंतेच्या राष्ट्रांचेर न्हय, अशें मत जगांतले सगले अर्थशास्त्रगिन्यानी सांगतात. भारताच्या वाडट्या अर्थीक म्हत्वाक लागून पोरूं वर्सा अमेरिका आनी येवरोप हांगा सावन 60 हजार भारतीय परतून भारतांत आयले अशी खबर इंटरनॅटा वरवीं पातळ्ळ्या.

अर्थीक जागतिकीकरणाक लागून हेर भासो सोंपतल्यो आनी फुडाराक इंग्लीश शिकले बगर उपाय ना हो विचार चुकीचो. हाचो अर्थ इंग्लीश शिकची न्हय असो न्हय. कोंकणी लोकांक पयलीं सावन खूबश्यो भासो येतात. ल्हान ल्हान भासांक फुडार आसा काय ना हें भास उलोवपी लोकांचेर निंबून आसतलें. आपणाली भास, संस्कृताय आनी अस्मिताय राखून दवरुन ते भाशे वरवीं समाजाची उदरगत करपाची जिद्द आसल्यार भास केन्ना मरची ना.

परिशदेचो वावर

आयज कोंकणी समाज एकरूप करून त्या समाजाची भास, अस्मिताय आनी आयडेंटिटी राखपाची भारतांतली एकच संस्था म्हणल्यार अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, आनी हे परिशदेची अधिवेशनां म्हणल्यार सगल्या राज्यांतल्या, कोंकणीच्या मळा वयल्या लेखकांनी, साहित्यिकांनी, समाज सेवकांनी, भौशीक समाज सेवकांनी कार्यकर्त्यांनी आनी फुडाऱ्यांनी एकठांय येवन, भासाभास करून फुडली दिका थारावपाचो मंच. कोंकणी मुखार आशिल्ल्या प्रस्नांचेर भासाभास करून ते बारकायेन तपासून, फुडल्या कांय वर्सानी कितें करूंक जाय हें आमी ह्या तीन दिसांत थारायतले अशी आस्त बाळगून आनी हे परिशदेचें अध्यक्षपद सोबोवपाची म्हाका संद दिल्ले बद्दल परिशदेच्या जाळवणदारांचे आनी तुमचे सगल्यांचे उपकार मानून म्हजें हें अध्यक्षीय उलोवप सोपयतां.

देव बरें करुं !

2010-2012 काळमानांत कोंकणी परिशदेन केल्ल्या वावशचो नियाळ

- आर.एस. भास्कर, सरकार्यदर्शी

कोंकणी समाजाच्या वेगवेगळ्या विभागां मदें एकामेकांची लागींची वळख आनी समज घडोवपाची मोख धरुन साबार मंडळान कोंकणी भास, साहित्य, संस्कृती तशेंच लोकवेद हे विशयांच्या आदारान दर वर्सा कार्यावळी घडोवन हाडपाचें थारायल्लें. ह्यो कार्यावळी म्हणल्यार ल्हान भासांच्या जाणकारां कडेन भासाभास, तरणाट्यां खातीर सृजनशीळ मेळावो, सांस्कृतिक आदान-प्रदान, जाणकारांचें व्याख्यान, कोंकणी रामायणाचो तुळनात्मक अभ्यास आनी परिशदेचो वर्धापन दीस. ह्या निर्णयाक अनुसरुन परिशदेन 2010-२०११ वर्सा तीन कार्यावळी आनी 2011-2012 वर्सा ४ कार्यावळी घडोवन हाडल्यो. ह्यो सात कार्यावळी सकल दिल्ले प्रमाण आसात.

72 वो वर्धापन दीस

8 जुलय 2010 दिसा कुंदापूर, कर्णाटक हांगा, जय कोंकणी हे संस्थेच्या आदारान परिशदेचो 72 वर्धापन दीस सुवाळो मनयलो. उडुपी जिल्ला परिशद अध्यक्षा श्रीमती ग्लाडीस आल्मैदा हाणीं ह्या कार्यावळीचे उक्तावण केलें. आपल्या उलोवपांत ताणी सांगलें, कोंकणीच्या विकासा खातीर सगळ्यांनी एकठांय येवन प्रयत्न करपाची गरज आसा. भाशेच्या माध्यमांत समाजांत भावनाप्रधान संबध घट करपाचें काम तरण्याट्यानी करचें अशें ताणीं सुचयलें.

कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृती तिगोवन दवरपा खातीर परिशदेन केल्लें काम तोखणायेचें जावन आसा अशें दो. तानाज हळर्णकर हाणी आपल्या बीज भाशणांत सांगलें आनी मुखार म्हळें, चार राज्यांतल्या, वेगवेगळ्या वर्गाच्या कोंकणी उलोवपी लोकांक लागीं हाडून तांचो एक समाज घडोवपाक परिशद वावरीत आसा.

आयचे तरणाटे आपली भास, संस्कृती, दायज आदी विशयां कडेन दुर्लक्ष करतात, देखून तांकां भास आनी साहित्य शिकपा खातीर उत्तेजन दिवंक जाय अशें परिशदेचे अध्यक्ष दो. एच. शांताराम हाणीं आपल्या भाशणांत सांगलें.

उक्तावणा उप्रांत समाजाचो एकचार ह्या विशयाचेर जो परिसंवाद जालो, ताचे ॲड. उदय भेंब्रे हे अध्यक्ष आशिल्ले. परिसंवादांत बस्ती वामन शेणै, के. के. सुब्रमण्यम, श्रीमती उषा पै हाणीं प्रबंदां मांडलीं.

आनी उपरांत तरणाट्यां खातीर विचार मंथनाचें सत्र जालें. गोंयचे तशेंच कर्नाटकाचे खूब कोंकणी तरनाटे उपस्थीत अशिल्ले.

भाशीक जाणकारांचो मेळावो

ल्हान भासांच्यो कांय सर्व साधारण अश्यो समस्या आसात. ह्या समस्यांचो अणभव ह्या भाशांच्या जाणकारानी एकामेकांक कळीत करपाक जाय आनी ताचेर विचार जावपाक जाय. ही मोख धरुन परिशदेन 19 ऑगस्ट 2010 तारखेक डोगरी, भोजपुरी, राजस्थानी, सिंधी, मणिपुरी, सारक्या अल्प भाशीक जाणकारांचो कांदोळी, हॉटेल कोरासांव हांगा भासाभास घडोवन हाडली. ह्या भाशांच्या विकासांत खंयच्यो अडचणी येतात हाचेर विचार जालो. एकच भाशेखातीर दोन वा चड लिपी वापरल्यो तर कसलो परिणाम जांवयेता हाचेरय चर्चा जाली. ह्या भासा भाशेंतल्यान ल्हान भाशांच्या समाजिक वातावरणाचो समज जालो. बिद्यानाथ झा विदित (मैथिली), चंद्र प्रकाश देवळ (राजस्थानी), स्ट्रीमलेट ड्खकर (खासी) आदी लेखकानी तशेच उदय भेंब्रे, पुंडलीक नायक, दो. तानाजी हळर्णकार, नागेश करमली, रमेश वेळुस्कार, गोकुळदास प्रभु आदी कोंकणी लेखकानी चर्चेंत वांटो घेतलो.

कोंकणी रामायणाचो तुळात्मक अभ्यास विशयाचेर परिसंवाद

कोंकणींत रामायणाचे वेगवेगळे प्रकार घोळटात, पुण ह्या प्रकारांचो फावो तसो अभ्यास जावंक ना. हे परिस्थितीं कोंकणी रामायणांचेर भाशा शास्त्राचे, साहित्याचे आनी लोकवेदाचे नदरेन अभ्यास सुरु करपाचे उद्देशान परिशदेन परिसंवाद घडोवन हाडली. कोंकणी रामायणाचो हो परिसंवाद 2 आनी 3 ऑक्टोबर, 2010 दिसानी मंगळूरांतल्या विश्व कोंकणी केंद्रांत आयोजित केलो. श्री उदय भेंब्रे हाणी दोन दिसांचे हे कार्यावळीचें उक्तावण केलें.

पयल्या दिसा, उक्तावण उप्रांत साहित्यिक विशयांचेर जें सत्र जालें, ताचे दो. हरिश्चंद्र नागवेंकार अध्यक्ष आशिल्ले. ह्या परिसंवादांत दो. सुनीता बाय, दो. सोनिया सीरसाट आनी श्रीमती प्रियदर्शिनी तडकोडकार हाणी प्रबंद सादर केले. दूसऱ्या दिसाच्या पयल्या सत्राचे दो. विल्यम द. सिल्वा अध्याक्ष आशिल्ले आनी तांतूत दो. रोकी मिरांडा, दो. माधवी सरदेसाय आनी श्री गोकुळदास प्रभु हाणी भाशीक विशयाचीं प्रबंधां मांडलीं. श्री रमेश वेळुस्कार हागेल्या येजमानपणा खाला घडिल्ल्या निमाण्या परिसंवादांत दो. जयंती नायक, दो. पांडुरंग फळदेसाय आनी श्री गोपाल गौडा हाणी कोंकणींतल्या रामायणांचो लोकवेद नदरेन नियाळ घेतलो.

समारोप सुवाळ्याचे श्री मत्तूर कृष्ण मूर्ती (संचालक, भारतीय विद्या भवन) हे मुखेल सोयरे आशिल्ले.

73 वो वर्धापन दीस

08 जुलय 2011 दिसा, कुमठा कर्नाटका हांगा परिशदेचो ७३ वो वर्धापन दीस सुवाळो मनयलो. सुवाळ्याचे दो. एच. शांताराम हे अध्यक्ष आनी दो. जे. वी. इस्लूर हे विद्वान मुखेल सोयरे आशिल्ले. दो. तानाजी हळर्णकार हाणी बीजभाशण केलें. गोकुळदास प्रभु, श्रीमती मीना काकोडकार आदी लेखक तशेंच दो. शिवराम कामत, नागेश शानभाग, मुरळीधर प्रभु आनी इतर थळावी संस्थेचे पदाधिकारी आनी साबार कोंकणी मोगी उपस्थित आशिल्ले.

कोंकणी लोककाणयांची विंगड विंगड तासां ह्या विशयाचेर परिसंवाद

कोंकणी लोककाणयांची तासां ह्या विशयाचेर परिशदेन गोंयांत 27 नोव्हेंबर 2011 दिसा, साखळेच्या कोंकणी सेवा केंद्राच्या जोडपालवान साखळेच्या सरकारी महाविद्यालयांत परिसंवाद घडोवन हाडलो. नामनेचे कोंकणी लेखक श्री. पुंडलीक नायक हांच्या हस्तुकीं परिसंवादाचें उक्तावण जालें. हो परिसंवाद दोन सत्रांनी जालो. पयल्या सत्रांत लोककाणयांतली नैतिकता, लोककाणयांत समाज-स्वायत्त अस्तुरी आनी लोककाणयांतलो नैतिक शिश्टाचार विशयांचेर अनुक्रमान डॉ. पांडुरंग फळदेसाय, डॉ. जयंती नायक आनी श्री. गुरुदत्त बंटवालकार हाणी प्रबंध मांडलो. ह्या सत्राचें अध्यक्षपद डॉ. तानाजी हळर्णकार हाणी भूशयलें.

जाल्यार दुसऱ्या सत्रांत लोककाणयांतलो सैम, कुंडेकुस्कूर, कुंडेकुरकूळ आनी सिंड्रेला ह्या विशयांचेर अनुक्रमान श्री. राजेंद्र केरकार, श्री. गोकुळदास प्रभु हाणी प्रबंध मांडले. ह्या सत्राचें अध्यक्षपद श्री. कमलाकर म्हाळशी हाणी भूशयलें.

दोनूय सत्रांत श्री. भूषण भावे, श्री. भालचंद्र गांवकार हाणी चर्चेत सहभाग घेतलो. ह्या परिसंवादांक उच्च उच्च माध्यमीक विद्यालयां तशेंच हेर महाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांनी, शिक्षकांनी आनी हेर मानेस्तांनी मोठे उर्बेन वांटो घेतिल्लो.

सांस्कृतीक कार्यावळींचे सादरीकरण

विंगड विंगड प्रदेशांतल्या कोंकणी भाशीक लोकां मदें कोंकणी संस्कृतीक दर्शन आनी आदान प्रदान जावपाची गरज आसा. देखून परिशदेन कुंभारजुवेंच्या श्री शांतादुर्गा कल्चरल असोसिएशनाचो आदार घेवन 22 जानेवारी 2012 दिसा मध्य केरळच्या उत्तर परवूर आनी कोची ह्या गांवानी कोंकणी लोक गीत/नांचांचें सादरीकरण केलें. कार्यावळीक थळाव्या लोकांचो मोटो प्रतिसाद लाबलो.

20 वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलन

फाटल्या दोन वर्सानी परिशदेन 20 वे अखिल

भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलन घडोवन हाडलें. साहित्य संमेलन 29,30 एप्रील आनी 01 मे 2011 अशे तीन दिसांनी सदिच्छा हॉल, सदाशीवगड, कारवार हांगा जालें. श्रीमती मीना काकोडकार हाणी हे संमेलनाचे अध्यक्षपद सोबयलें. श्री. गिरिराज किशोर ह्या नामनेच्या हिंदी लेखकान संमेलनाचें उद्घाटन केलें. श्री. प्रभाकर राणे (कर्नाटक राज्याचे आदले शिक्षण मंत्री) मानाचे सोयरे आशिल्ले.

संमेलनाक चार परिसंवाद आनी दोन कवी संमेलनां जालीं. परिसंवादाचे विशय आशिल्ले (1) राष्ट्रीय आनी आंतर राष्ट्रीय पांवड्यार कोंकणी साहित्याची वाटचाल (2) उत्तर कन्नड जिल्ल्यांतलें कोंकणी साहित्य (3) कोंकणींत विज्ञानीक साहित्य आनी (4) कोंकणींतलें बाल साहित्य, गोंय, कनार्टक, केरळ आनी महाराष्ट्र राज्याच्या साठां वयर जाणकार, लेखक आनी कवीनीं ह्या कार्यावळीनी वांटो घेतलो. नाना प्रदेशाच्या कलाकारानी एप्रिल 29 आनी 30 तारखेक रातची सांस्कृतीक कार्यावळ बी सादर केल्ली.

संमेलन घडोवन हाडपाक कोंकणी संस्कृती मंडळ,सदाशीवगड हे संस्थेचो आदार मेळ्ळो.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेची आतांमेरेनची अठ्ठावीस अधिवेशनां

स्थापना आनी पयलें अधिवेशन : कारवार 8-9 जुलय, 1939
संस्थापक येवकार अध्यक्ष : श्री. माधव मंजुनाथ शणै शानभाग
अध्यक्ष : श्री. विश्वनाथ पांडुरंग प्रभू

दुसरें अधिवेशन : उड्डपी 31 डिसेंबर, 1940
येवकार अध्यक्ष : डॉ. टी. एम. ए. पै
अध्यक्ष : श्री. जेरोम साल्ढाना

तिसरें अधिवेशन : मुंबय 4-5 एप्रील 1942
येवकार अध्यक्ष : श्री. वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकर ऊर्फ शणै गोंयबाब
अध्यक्ष : प्रो. आर्मांद मिनेझीस

चवथे अधिवेशन : मुंबय 1949
येवकार अध्यक्ष : रेव्हरंड डॉ. एच. ओ. मास्कारेन्हास
अध्यक्ष : डॉ. एम. यू. मास्कारेन्हास
उद्घाटक : स्वामी आनंदाश्रमजी (चित्रापूर मठाचे स्वामी)

पांचवें अधिवेशन : मुंबय 23-24 फेब्रुवारी 1952
येवकार अध्यक्ष : बा. भ. बोरकर उर्फ बाकीबाब बोरकार
अध्यक्ष : डॉ. मारियान साल्ढाना
उद्घाटक : व्हालेरियान कार्डिनल ग्रासियस (मुंबयचे आर्चबिशप)

सवें अधिवेशन : मुंबय 27-28 एप्रील 1957
येवकार अध्यक्ष : श्री. रामचंद्र नारायण नायक
अध्यक्ष : डॉ. सुमित्रा मंगेश कत्रे
उद्घाटक : आचार्य काकासायब कालेलकार

सातवें अधिवेशन : कारवार 16 मे 1960
येवकार अध्यक्ष : ॲड. पी. एस. कामत
अध्यक्ष : डॉ. बी. एम. सालेतोरे
उद्घाटक : श्री. द्वारकानाथतीर्थ (पर्तगाळ मठाचे स्वामी)

आठवें अधिवेशन : मडगांव 26-27 मे, 1962
(मुक्त गोंयांतलें पयलें अधिवेशन)
येवकार अध्यक्ष : श्री. रवींद्र केळेकार
अध्यक्ष : डॉ. मनोहरराय सरदेसाय
उद्घाटक : श्रीमती व्हायोलेट आल्वा (राज्यसभा उपाध्यक्ष)

णववें अधिवेशन : मुंबय 20-30 सप्टेंबर, 1967
येवकार अध्यक्ष : मॉसिन्योर आयरिश फेर्नांदीस
अध्यक्ष : श्री. बा. भ. बोरकर उर्फ बाकीबाब बोरकर
उद्घाटक : श्री. वसंतराव नाईक (महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री)

धावें अधिवेशन : पणजी 9-10 फेब्रुवारी, 1974
येवकार अध्यक्ष : श्री. अनंत नरसिंह नायक (बाबू नायक)
अध्यक्ष : श्री. के. के. पै
उद्घाटक : डॉ. सुनीतिकुमार चटर्जी (साहित्य अकादेमीचे अध्यक्ष)

इकरावें अधिवेशन : मंगळूर 21-22 फेब्रुवारी, 1976
येवकार अध्यक्ष : श्री. के. के. पै
अध्यक्ष : श्री. चंद्रकांत केणी
उद्घाटक : श्रीरामकृष्ण मिशन मंगळूरचे स्वामी

बारावें अधिवेशन : कोची 11-12 फेब्रुवारी, 1978
येवकार अध्यक्ष : डॉ. जे. ए. भट
अध्यक्ष : श्री. रवींद्र केळेकार
उद्घाटक : श्री. ए. के. एन्थनी (केरळचे मुख्यमंत्री)

तेरावें अधिवेशन : मुंबय 12-13 एप्रील, 1980
येवकार अध्यक्ष : श्री. एए जे मार्तिरीश
अध्यक्ष : श्री. एन. पुरुषोत्तम मल्ल्या
उद्घाटक : श्री. प्रतापसिंग राणे (गोंयचे मुख्यमंत्री)

चवदावें अधिवेशन : पणजी 27-28 फेब्रुवारी, 1982
येवकार अध्यक्ष : श्री. उदय भेंब्रे
अध्यक्ष : श्री. व्ही. जे. पी. साल्डाना
उद्घाटक : डॉ. उमाशंकर जोशी (साहित्य अकादेमीचे अध्यक्ष)

पंदरावें अधिवेशन : बेंगळूर 11-13 **मे**, 1984
येवकार अध्यक्ष : श्री. एम. यू. हट्टीकुडूर
अध्यक्ष : श्री. नागेश सोंदे
उद्घाटक : श्री. ए. एन. बानर्जी (कर्नाटकाचे राज्यपाल)

सोळावें अधिवेशन : कोची 24-25 **मे**, 1986
येवकार अध्यक्ष : श्री. एन. पुरुषोत्तम मल्ल्या
अध्यक्ष : श्री. उदय भेंब्रे
उद्घाटक : श्रीमती एम. कमलम (केरळच्यो सहकार मंत्री)

सतरावें अधिवेशन : मणिपाल 6-8 **जानेवारी**, 1989
येवकार अध्यक्ष : श्री. टी. रमेश यू पै
अध्यक्ष : श्री. माधव विठ्ठल कामत
उद्घाटक : श्री. एदुआर्द फालैर (केंद्रीय अर्थ खात्याचे राज्यमंत्री)

अठरावें अधिवेशन : रामनाथी (गोंय) 14-16 **डिसेंबर** 1990
येवकार अध्यक्ष : श्री. माणिकराव गावणेकार
अध्यक्ष : प्रो. आर. के. राव
उद्घाटक : डॉ. जुझे पेरैर

एकोणिसावें अधिवेशन : मडगांव 16-17 **जानेवारी**, 1993
येवकार अध्यक्ष : श्री. दत्तराज साळगांवकार
अध्यक्ष : श्री. जे. बी. मोरायश
उद्घाटक : श्री. रवी नायक (गोंयचे मुख्यमंत्री)

विसावें अधिवेशन : शिरसी (कर्नाटक) 11-12 **फेब्रुवारी**, 1995
येवकार अध्यक्ष : श्री. व्ही. एस. सोंदे
अध्यक्ष : डॉ. काशिनाथ महाले
उद्घाटक : श्री. आर. व्ही. देशपांडे (कर्नाटक राज्याचे मंत्री)

एकविसावें अधिवेशन : मुंबय 18-19 **जानेवारी**, 1997
येवकार अध्यक्ष : श्री. एस. एफ. एक्स. पेरैरा
अध्यक्ष : श्री. डॉ. विल्यम माडता

बाविसावें अधिवेशन : बेळगांव 15-17 **जानेवारी**, 1999
येवकार अध्यक्ष : श्री. हरिश्चंद्र उर्फ चंद्रा पै
अध्यक्ष : श्री. पुंडलीक नारायण नायक
उद्घाटक : श्री. उमेश कत्ती (कर्नाटक राज्याचे साकार मंत्री)

तेविसावें अधिवेशन : मंगळूर 20-21 **एप्रील**, 2002
येवकार अध्यक्ष : मोंसिन्योर अलेक्झांडर एफ डिसोजा
अध्यक्ष : डॉ. तानाजी हळर्णकार
उद्घाटक : श्री. रामनाथ राय (कर्नाटकाचे नुस्तेमारी मंत्री)

चोविसावें अधिवेशन : कालिकत (केरळ) 13-15 **फेब्रुवारी**, 2004
येवकार अध्यक्ष : श्री. के. सुरेंद्र राव
उद्घाटक : श्री. ओ. राजागोपाल (केंद्रीय संसदीय कार्यराज्यमंत्री)
अध्यक्ष : श्री. बस्ती वामन शणै

पंचविसावें अधिवेशन : पणजी (गोंय) 10-12 **फेब्रुवारी**, 2006
येवकार अध्यक्ष : ॲड. शांताराम नायक
उद्घाटक : श्री. एस. सी. जामीर (गोंयचे राज्यपाल)
अध्यक्ष : श्री पॉल मोरास

सव्वीसावें अधिवेशन : एरणाकुळम (कोची) 1-3 **फेब्रुवारी** 2008
येवकार अध्यक्ष : टी. एम. व्ही शेणै
उद्घाटक : श्री. के. के. पै
अध्यक्ष : श्री शांताराम नायक

सत्ताविसावें अधिवेशन : सांखळी (गोंय) 5-6 **फेब्रुवारी**, 2010
येवकार अध्यक्ष : श्री. विश्वजीत राणे (मा.भलायकी मंत्री, गोय राज्य)
उद्घाटक : श्री. दिगंबर कामत (मा. मुखेलमंत्री, गोंय राज्य)
अध्यक्ष : डॉ. एच्. शांताराम

अठ्ठाविसावें अधिवेशन : शिवाजी पार्क, मुंबय 17-18 **फेब्रुवारी**, 2012
येवकार अध्यक्ष : डॉ. प्रेमानंद रामाणी
उद्घाटक : श्री. रामदास भटकळ
अध्यक्ष : अरविंद भाटीकार

अधिवेशनाचीं खीण - चित्रां

उक्तावण सुवाळ्याचे मानेस्त



येवकार - डॉ. शंकर रामाणी

उक्तावण सुवाळो

पुस्तक विमोचन

पुस्तक विमोचन

अधिवेशनाचीं खीण - चित्रां

उद्घाटक श्री. रामदास भटकळ
श्री. मेल्विन रोड्रिग्स हांचो भोवमान करतना

श्री. मेल्विन रोड्रिग्स भोवमान सुवाळो

डॉ. एच. शांताराम नव्या अध्यक्षांक सुत्रां सोपयतना

परिशदेचे अध्यक्ष श्री. अरविंद भाटीकार

आदले अध्यक्ष डॉ. एच. शांताराम हांचो भोवमान

आदले अध्यक्ष डॉ. एच. शांताराम हांचो भोवमान

अधिवेशनाचीं खीण - चित्रां



परिशदेचे कार्याध्यक्ष श्री. गोकुळदास प्रभु

परिसंवाद - कोंकणी शिक्षण - समस्या आनी आव्हानां

परिसंवाद - कोंकणी शिक्षण - समस्या आनी आव्हानां

परिसंवाद - कोंकणी मनशांच्या सोदांत - संघटन आनी प्रसार

परिसंवाद - नवें युग आनी आधुनीक वेवसाय - कोंकणी युवक फाटीं आसा व्हय ?

परिसंवाद - कोंकणी अस्मितायेचे राखणे खातीर कोंकणी रंगभूमीचें योगदान

अधिवेशनाचीं खीण - चित्रां



श्री. मोहन संझगिरी



डॉ. सी. एन. शेणै



श्री. पय्यनूर रमेश पै

डॉ. उषा हेरंजल



श्री. पुंडलीक नायक



श्री. दिलीप बोरकार

श्रीमती इंन्दु गेरसप्पे



श्री. आर. एस. भास्कर

अधिवेशनाचीं खीण - चित्रां

परिसंवाद – कोंकणी मनशांच्या सोदांत :
संघटन आनी प्रसार

परिसंवाद – गोंय आनी लागींचो प्रदेश :
लागणूक आनी एकचार

कवी संमेलन

कवी संमेलन

कवी संमेलन

डॉ. तानाजी हळर्णकर श्रीमती अरुणा राव
हांचो भोवमान करतना

कवी संगेलनाचीं खीण - चित्रां

सांस्कृतीक कार्यावळ खीण - चित्रां



समारोप सुवाळ्याचे मानेस्त



मुखेल सोयरे – श्री. सुरेश प्रभु (आदले केंद्र मंत्री)
उलोवप करतना

भोवमान सुवाळो

भोवमान सुवाळो

भोवमान सुवाळो – श्रीमती शीला कोळंबकर

भोवमान सुवाळो – श्रीमती जयमाला दणायत



कर्नाटकांत कोंकणी शिक्षण - समस्या आनी आव्हानां

- अरूण उभयकर, कुमटा

कर्नाटक सरकारान कोंकणी ही एक अल्प संख्यांक भास (Minority Language) म्हणुन मान्यता दील्न आमगेले भाषेक मस्त उपकार केल्ला. कोंकणीक 1994 इसविंक एक स्वतंत्र साहित्य एकाडेमि स्थापन कोर्नु प्रति वर्ष 50 लाख अनुदान (Annual Grant) मंजूर केल्ला - हाज्ञान कोंकणिचे सर्वांगीण उन्नतिक साहित्यिक प्रगतीक सांस्कृतिक पुनरुत्थानाक साध्य जाल्ला.

तारिख 13-3-2007 दिवस कर्नाटक सरकारान एक सरकारी आज्ञा (Government Order) काडले आनी कोंकणी लोंकागेली मस्त दिसाची मागणी पूर्ण केल्ली. ते आज्ञेप्रकार 6 वे वर्गा पासून 10 वे वर्गापर्यंत त्रंतिय भास जाल्नु कोंकणी एक ऐच्छिक भास (Optional Language) म्हणुन शाळेंतु चर्डवांक शिकवेद. तांतू सांगिले प्रकार कोंकणीक कानडी अथवा देवनागरी लिपी स्वीकार कोर्चाक चर्डवांक स्वातंत्र दिल्ला. पठ्य पुस्तकांत एक भागांत कानडी आनीक भागांत देवनागरी असी दोन लिपीत पाठ आनी प्रस्नोत्र छापचि व्यवस्था केल्ला.

I) समस्या (*Problems*)

जाल्लेर कोंकणी शिक्षणाचे अनुष्टानांत अनेक समस्या उत्पन्न जाल्येत.

A) पालकांची निरासक्ती

कोंकणी सिकुन मुकारि लाभ किते हे प्रस्नाक लाग्गुन पालकंक तांचे चर्डाले भविष्याचि चिंता दिस्ता. कोंकणी सिकलेरि मुखारि उद्योग अथवा उच्च शिक्षणांतु ताज्ञो फायदो कित्ते नास्तलो अश्शी तांगेलो संशय ताज्ञे निमित्त पालक अथवा चर्डांक कोंकणी शिकपांक आसक्ति ना.

B) दक्षिण कन्नड जिल्ला

दक्षिण कन्नड जिल्लांत क्रीस्त समुदायाचे पालक आनि चर्डानि जास्ति प्रयत्न केल्लो. कोंकणी शिकपाचे चर्डालिची संख्या जास्ति आसुन ते सर्व कानडी लिपीचे वाफर करतात. हाक्का कारण म्हळ्ळेर तांचि धार्मीक पुस्तकां, वार्ता पत्र सर्व कानडी लिपिंत आसतात आनी तांका ताज्ञो अभ्यास (रुडि) पैले धर्नु आसता. हांच्च्यो देवनागरी लिपीक विरोध आस्सा. जाल्लेर इतर हिंदु समाजाचे विंगड पंगड जे आस्सात तांका कोंकणी शिक्षण विषयांतु आस्था दिस्सुनु येना. मात्रभाषेचो प्रेम अज्ञुन शिक्षणा विषयांतु जाग्रत जालो ना. ताचे परिणाम जाव्नु हे चर्डाची संख्या शाळेंत समाधानकर ना. मस्त कम्मि आसा.

जाल्लेर कर्नाटक कोंकणी अल्पसंख्यांक संस्थेचे एक संघ, (रि) मंगळूर आस्सुन हे संघाचे वतीन मस्त चाल्लू आस्सा. देवंनागरी लिपीचो प्रसार करचाक आनी शाळेंत पालकांक मेनेजिमेंटाक कोंकणी शिक्षण दिवचे खातीर तान्नी मस्त चळवळ केल्ला .

C) उत्तर कन्नड जिल्लो

उत्तर कन्नड जिल्यांत कोंकणी शिक्षण दिवची संस्थे कुमटातु आस्साति. जाल्यार चर्डांगेली संख्या मस्त कम्मि आस्सा ते सुद्दा 6 वे आनी 7 वे वर्ग पर्यंत आस्सा. हे स्कूल विभागांतुं कोंकणी अजून प्रवेश जालिना.

तीन भाषा सुत्रा प्रकार कर्नाटकांत कन्नड ही एक भाषा सक्तिची (Compulsory) आसुन इंग्लीष माध्यम शाळेंक इंग्लीष ही एक सक्तिची उरचाक जाय. प्रथम भाष

जाव्नु संस्क्रंत घेत्तिले कारण कोकंणिक प्रवेश ना. हि एक समस्या निवारण कोर्चाक सर्व शाळे मेनेजमेंटान मेळ्नु प्रयन्त कोर्चे अत्यंत गरजेचे आस्सा .

D) कारवार तालूकेचे राजकीय परिस्थिती

कारवारांतु कोंकणी उल्लेतले कोकंण मराटा, बांदि, खार्वि, देवळी, गावडि, हरिजन समाजाचे लोक जास्ति संख्येंत आसात. कारवाराक लागुन माजाळी, सदाशिवगड, जोय्डा इत्यादी प्रदेशाचे लोक 90% कोंकणी असात. त्या आधाराचेर हे प्रदेश गोमांतकाक (गोयांक) विलीन कोर्का म्हणु एक समिती रचना जाल्लि. तान्नी कोर्टांतु सुद्दा हाज्रि खातिर तांगेले मागणि घाली. जाल्लेर '' कर्नाटक रक्षणा वेदिका'' हे संस्थेचे कार्यकर्तानि हे समितिचे पदाधिकारिंक घेराव घाल्नु अपमानु केल्लो – आनि ताज्रे कारणाक कोंकणी चळुवळीक मार पळ्ळो. प्रबल राजकिय विरोध उत्पन्न जाव्नु कन्नड लोक जाग्रत जाल्ले. कोंकणी शिकचे विषयातु तांका संशया उत्पन्न जाल्लो कि हाज्रान हो प्रदेश कर्नाटकातुलेन क्रमेण गोवाक विलीन जातलो. अजुन कर्नाटकातुलेन क्रमेण गोवाक विलीन जातलो. अजून कोंकणी शिक्षणा खातीर थंचे वातावरण अनुकूल ना .

E) सरकारी अधिकारींगेलो असहकार

कर्नाटक सरकार 13-3-2007 तारीखेक कोंकणी शिकपाक अनुमति दिल्ला. जालेर सुद्दा ही माहिती प्रत्येक शाळेंत आज पर्यंत प्रसार जाल्ले ना. उपनिर्दाशक (D.D.P.I.) अथवा तालूकाचे शिक्षणाधिकारी (B.E.O.) हान्नी हाज्री (Circular) माहिती काडून खंचे शाळेंक धाडून दिल्लेना. राजकिय कारणाने ते तटस्थ उरले. कन्नड चळुवळि ताज्राब लोकांगेले विरोध कित्याक बांधुनु घेवका आनी येतली आपले अधिकाराक आनी सुरक्षाक अडचण म्हणू तान्नी सहकार दिल्लेना. 90% लोकांक अजून पर्यात कोंकणी शिक्षण घेवचे अनुमति सरकारान दिल्ला हे माहिती ना.

F) पठ्य पुस्तकांत दोष

Karnanatakla Directorate of text Books (कर्नाटक पठ्य पुस्तक निर्देशनालय) ही संस्थेन कोंकणी पाठ्य पुस्तक तयार करचे जबाबदारी कर्नाटक कोंकणी साहित्य एकाडेमिक दिली. तांगेले सहकाराने सिलेबस (Syllabus) तयार केल्ले. नंतर Text Books Committee तर्फे पठ्य पुस्तक तयार केल्ले. पण हे पठ्य पुस्तकांत 90% Christian Dialect आनी साहित्य वाफरला. ताज्रे परिणाम जाव्नु इतर हिंदु समाजा चडांक हे पाठ, व्याकरण, प्रश्नोत्तर इत्यादि ग्रहण कर्चाक खूब कष्ट जाल्ला. पालक आनी विद्यार्थी हांगेले अनासक्तिक हे एक कारण जाल्ला. हाक्का कारण पठ्य पुस्तक समितिंत क्रिस्त समाजाचे प्रतिनिधी जास्ती आसात – इतर समाजाचे लोकांक योग्य प्रतिनिध्य ना. देवनागरी आनी कानडी लिपिचे पुस्तकांत अनेक फरक आसात (एकरुपता ना)

G) प्रमाणिक्रत (ग्रांथिक) रूपाची गरज

कर्नाटकात कोंकणी अंदाज 25-30 बोली (Dialects) आसात.

प्रादेशिक भेद :– कारवारी, कुमटा, होन्नावरी, मंगळूरी

जातिवाद भाषा भेद :– सारस्वत, दैवज्ञ, गावडी, भंडारी, नवायती, सिद्दी, धोभि, हरिजन, कोंकण मराठा, कोमारपंथ, कुन्बि, शेरूगार, महाले (Barber), देवळी (Kalavant), दार्जी, आचारि (Vishwakarma) खर्वि इत्यादी अनेक बोलि आस्सत. जाल्लेर एक प्रामाणिक्रत रुप (Standardies Form) कोंकणिंत अजुन निर्माण जाल्लेना. प्रत्येक बोलि मध्ये मस्त फरक आसात. ऐक ग्रांथिक रुप. हे कारणान एक प्रदेशाचे पुस्तक, साहित्य, वार्तापत्र दुसरे प्रदेशाचे लोकांक संपूर्ण ग्रहण करचाक साध्य ना. तश्शी जाव्नु बोली हे लोकामध्ये, साहित्या मध्ये एक व्दीप (Island) निर्माण करत कर्नाटकांत कोंकणी पठ्य पुस्तक रचना एक होड अडथळ आस्सा.

H) तरबेत शिक्षकांचे गरज (Lack of Trained Teachers)

कोंकणी शिकौचाक कर्नाटकांत तरबेत जाल्ले शिक्षक मेळना ही एक होड समस्या. कोंकणी घेव्नु (B.Ed / D.Ed.) पदवी घेतिल्ले शिक्षक हांगा अजून मेळचे ना । त्या कारणान कर्नाटक सरकार कोंकणी शिक्षकांक पगार (Salary) दिना Private Management शाळेंत शिक्षकांक पगार दिवचे पडता. Recently विश्व कोंकणी

केंद्रातर्फे हे शिक्षकांक 3-5 हजार रुपय पगार दिवचाक व्यवस्था केल्ला. कर्नाटक सरकार मुखावैले वर्स कोंकणी विषय घेवनु (B.Ed./D.Ed.) पदवी घेतिले शिक्षकांक पगार दित्तले अशिश आश्वासन मेळ्ळा .

II) आव्हानां (*Challenges*)

1) भाषा तज्ञ शिक्षण तज्ञ हान्नि मेळनु कोंकणीक एक सर्व सम्मत ग्रांथिक रुप दिवचे । हाज्ञे खातिर इतर कोंकणी संस्था विश्व कोंकणी केन्द्र, कोंकणी साहित्य ऐकाडेमि हाज्ञो सहकार घेवचो.

2) पठ्य पुस्तक समितित (Text Books Committee) सर्व समाजाचे प्रतिनिधिक प्रातिनिध्य दिवच. पठ्य पुस्तकांत चडगिले (Difficulty Level) हाक्का अनुकूल जाव्नु इतर प्रादेशिक जातिचे बोलिचे पर्याय शब्द वाफरचे. देवनागरी अथवा कानडी लिपीचे पुस्तकांत एकरूपता हाडचे .

3) उत्तम quality पठ्य पुस्तक तयार कोर्चाक Resource Books आनी Guides / Exercise Books / Grammer हाज्ञि गरज आसा .

4) विश्व कोंकणी मंगळूर ही संस्था कोंकणी शिकतले चर्डांक Scholarships, School Bags दीव्यु प्रोत्साहन दिता. इतर कोंकणी संस्थाने सुद्दा हि योजना स्विकार कर्चे .

5) कर्नाटक कोंकणी साहित्य एकाडेमि हि संस्थेवतीन B.Ed./D.Ed. पदविचे कोंकणी Syllabus तयार केल्ला. हे प्रयोगांत हाडल्यार कोंकणी शिक्षक मेळतले आनी तांका सरकारी पगार मेळतलो .

6) पालक, विद्यार्थी आनी शिक्षणखातेचे अधिकारिंगेलो सहकार शिक्षणा खातिर घेवचो. हाक्का सर्व रीतिन प्रचार/प्रसाद करचाक मीडीयाचो उपयोग करचे.



परिशद लोकां मेरेन लोक परिशदेकडेन

– डॉ. तानाजी हळर्णकार

संस्था आनी लोक हांचे एक नातें जाता. लोक संस्था निर्माण करता. उप्रांत लोकांनी निर्माण केल्ली संस्था लोकांचे उद्दीश्ट साध्य करता. संस्था म्हणजे, लोकांनी लोकांखातीर निर्मिल्ली लोकांची निर्मिती. संस्था म्हणजे लोकांची उद्दीश्ट – पुर्ती करपी लोकांची निर्मिती. जंय लोक, थंय संस्था आनी जंय संस्था थंय लोक असो तो नाते – संबद आसता. लोक आसा थंय संस्था ना अशें चडशें अशें जायना. संस्था आसा थयं लोक ना अशें केन्नाच जायना. मनीस हो सामाजीक प्राणी जाल्ल्यान, एकोडो, एकमुळो रावप ताचे प्रकृतीक मानवना. पिंडान मनीस पंगड – वासी ताका खंयचो ना खंयचो पंगड लागता. तेच खातीर समाजांत धर्म, जात, कुटुंब, गोत्र अशे पंगड घडल्यात. उप्रांत कितलेशेच सामाजीक ,सांस्कृतीक पंगड, ते–ते गरजें तल्यान मनशान निर्माण केल्यात. संस्थे फाटल्यान वैयक्तीक सांगता ह्या तत्वा वांगडा भौशीक – आदार हें आनीक एक तत्व आसा. पयल्या तत्वावरवीं मनीस सांगता पणाचें मानसीक समादान भोगता. दुसऱ्या तत्वावरवीं मनीस आपणाखातीर भौशीक – आदाराची सोय करुन दवरता. जी गजाल एकट्या दुकट्या कडेन जावप कुस्तार वा अशक्य आसता, ती करपाक भौशीक – बळगें लागता. हें बळगें ताका संस्था दिता म्हणून समधर्मी, समविचारी लोक भौशीक उद्दीश्ट प्राप्तीखातीर एकठांच येवंन संस्था घडयता.

संस्था लोकांकडसून घेता. लोक संस्थेकडसून घेता. दोगांय मदले देव – घेवी चेर संस्थेचो संसार चलता जेन्ना ही देवा घेव उणी जाता तेन्ना संस्थेचें लोकां मदलें म्हत्व उणे जाता. जेन्ना ही देव घेव सोंपता तेना संस्थाय सोंपता.

हे फाटभुंयेर अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचो विचार जातांना कांय गजाली नदरेमुकार येतात.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशद ही कोंकणी समाजाची म्हालगडी संस्था. एक आद्य संस्था. राश्ट्रीय पांवडयार कोंकणीचो वावर करपी एकमेव संस्था. फाटलीं पंचाहत्तर वर्सां, राश्ट्रीय पांवडयार सातत्यान वावर करपी परिशदेसारखी दुसरी कोंकणी संस्था ना. देशभर पातळिल्ल्या कोंकणी समाजाक, तिणे आपल्या वावरा वरवीं, एक ठांय हाडल्यात तांचें मदीं विचार – मंथन घडोवन हाडपाक एक राश्ट्रीय व्यासपीठ दिलां. लोकांक लागी जावच्या उद्देशान, परिशद आपल्यो वर्सुक्यो कार्यावळी (परिशद आनी साहित्य संमेलन) कोंकणी समाज रावता त्या राबित्याच्या प्रदेशांनी (गोंय, कर्नाटक, महाराष्ट्र आनी केरळ) आयोजीत करता. धर्म, जात, प्रदेश, लिपी अशा घटकांमदी वांटून गेल्ल्या, सगळ्यां कोंकणी मनशांक परिशद लागीं करता. तेखातीर खासा प्रयत्न करून सगळ्यां घटकांक परिशदेच्या कारभारांत आनी कार्यक्रमांनी प्रतिनिधित्व मेळटलें म्हणपाची जतनाय घेता.

चारुय राज्यांतले कोंकणी मनीस पयलेच फावट एकठांच आयले ते परिशदेच्या माटवांत. ही गजाल पंचाहत्तर वर्सा पयलिंची. आजय तीच परंपरा चलता. आजय, चारय, राज्यांतल्या कोंकणी मनशांक, एकमेकांक मेळपाची सुवात, परिशदेचोच माटोव जाल्या. चारय राज्यांतल्या कोंकणी वावराची आनी ताच्या मुखार आशिल्ले अडी – अडचणिची माहिती, आजय परिशदेच्या माटवांतच मेळटा. चार राज्यांतल्या, चार लिपिंतल्या साहित्याची वळख आनी चार कडच्या कोंकणी संस्कृतायेचे दर्शन, जावपाची सुवात परिशदेचोच माटोव आसा. कोंकणीच्या चार प्रादेशिक जुव्यांचेर पूल बांदप जालो तो परिशदेच्या माटवांत. आमी एकोडे नात. आमच्या वांगडा आनीकय आसात. आमी एकसंघ आसात हो आंतरीक भरवंसो ह्याच माटवांत मेळळो.

आंसू आमचे वेगळे प्रदेश आनी वेगळ्यो लिपी, नातर वेगळे धर्म आनी वेगळ्यो जाती तरीय आमची एक भास,

कोंकणीभास आमचो एक समाज – कोंकणी समाज आमची आस्मिताय– कोंकणी आस्मिताय. पयल्या अधिवेशनासावान आयज मरेन हो कोंकणी संदेश सातत्यान वचत आसा तो परिशदेच्याच माटवांतल्यान.

परिशद आपले परीन, आपले मर्यादे भितर, लोकां मेरेन पावपाचो प्रयत्न करीत आसा तरीय एक दोन प्रस्न जापेक रावताच.

लोकांमरेन पावपाचें अपेक्षीत उद्दिश्ट परिशद साध्य करूंक पावल्या व्हंय? प्रस्न एक. लोक आपूण जावन परिशदेकडेन गेल्यात व्हय ? दुसरो प्रस्न. दोनय प्रस्नांक'ना' अशीच जाप मेळटली

परिशदेच्या वर्सुकी राश्ट्रीय अधिवेशनांतली उपस्थिती समादानकारक दिसना. चारय राज्यांतले कोंकणी मनशांचे लोक संखेक धरुन ती ना ही वस्तुस्थिती वयल्या 'ना' जापेची गवाय आसा.

ह्या 'ना' क दोन आयाम आसा एक लोकांमरेन पावपाक परिशदेक यश मेळूकना. दोन, परिशदेक वळखुपाक लोक उणे पडल्यात. फाटली धायेक वर्सां सोडली तर, आदल्या काळांत परिशद म्हणजे हें संमेलन तें तें संमेलन, आनी अधिवेशन तें तें अधिवेशन अशी धारणा जाल्ली एक संमेलन जाले उप्रांत दुसरें संमेंलन जाय म्हणसर, मदल्या काळांत, परिशदेची कांय हालचाल नासताली ताकालागून, ह्या मदल्या काळांत परिशदेचो लोकांकडचो आनी लोकांचो परिशदे कडलो संपर्क तुट्टालो. हालींसरा, परिशदेन हे बाबतींत कूस परतिल्या. आतां परिशद दोन संमेलनामदीं, दोन अधिवेशना मदीं, आपल्या कार्यावळीवरवीं लोकांमेरेन पावता. हाका लागून, आदले तुळेन, आता परिशदेची लोकांक सातत्यान वळख जावंक पावता.

आदी आनी आतांय, परिशदेचीं संमेलनां, अधिवेशनां त्याच त्याच सुवातिंनी पर्थून पर्थून जातात. महाराष्ट्रांत मुंबय भायर एक संमेलन वा अधिवेशन केन्ना जालेंना. गोंयांक ते कून आशिल्ल्या सावंतवाडी, मालवण, रत्नागिरी ह्या कोंकण प्रदेशांत एक दोन संमेलनां – अधिवेशनां जांव येतालीं. जालिंनात. केरळांत, एका कॅलीकतचो आडवाद सोडलो तर, बाकिचीं सगळीं संमेलना – अधिवेशनां कोची, आनी कोचीक लगसार, एर्नाकुलमांत आयोजीत जाल्यांत. महाराष्ट्र आनी केरळ सोडलें तर कर्नाटक आनी गोंय प्रदेशांत वेगवेगळ्यां सुवातिंनी तीं जाल्यांत. कर्नाटकांत मंगळूर, कारवार, बेळगांव, शिरसी, बेंगळूर, कुमटा, कुंदापूर अशा सात सुवांतिंनी अधिवेशनां–संमेलनां जाल्यांत. पूण हांगांय एक उणीव आसा. मंगळूर आनी कारवार सोडलें तर हेर कडेन दुसरे फावट अधिवेशन वा संमेलन जावंकना. पयले फावट एकदां जाल्ले तितकेंच हे बाबतींत गोंय फुडें आसा. गोंयांतल्या इकराय तालुक्यांनी अधिवेशन वा संमेलन जालां. जायतेकडेन एकापरस चड फावटी जालां.

परिशदेच्या उपक्रमांच्या वाठारांचो विचार केल्यार दोन गजाली जाणवता. एक केरळांत कोची भायर परिशद एकदांच वचूंक शकली. पर्थून ना. जंय एकीकडेन गेली थंयच पर्थून दुसरे फावट पावलिना. कर्नाटकांत, मंगळूर आनी कारवार सोडले तर बेळगांव, शिरसी, बेंगळूर, कुमटा आनी कुंदापूर परिशद पर्थून पावलिना. हांगां एकदांच पाविल्ली तितकीच कोची अनी मंगळूर ही केंद्रां सोडून परिशद जंय गेली थंय आयले बस्तान बसोवंक पावलिना असो हाचो अर्थ जाता.

दुसरी गजाल मुंबय, मंगळूर, कोची आनी गोंय, ह्यां वाठारांनी थळाव्यां कोंकणी संस्थांनी कोंकणीची चळवळ चलयल्या. हे चळवळीचो लाव परिशदेक मेळलो. परिशदेचे मूळ धोरण अशें आसलें. चार राज्यांत थळाव्यो कोंकणी संस्था उबारपाक प्रेरणा दिवप. प्राथमिक स्वरुपाची तांची गरज भागोवप. ह्यां संस्थांच्या सहकार्यान परिशदेचीं अधिवेशनां संमेलनां धरुन एकंदर कोंकणी चळवळ चलोवप. प्रत्यक्ष काम आपल्या भुजांर घेनासतांना, थळाव्यां संस्थाक वावराची कार्यावळ दिवन तांकां सातत्यान कार्यरत दवरप. तेखातीर अधिवेशन – संमेलनावरवीं राश्ट्रीय व्यासपीठ उपलब्ध करप. त्यानिमतांन चारय राज्यांतल्या कोंकणी लोंकांचे मनोमिलन घडोवन हाडप तांचेमदी विचारांची देव – घेव करप.

हें धोरण नदरेमुखार दवरून परिशदेन, सुर्वेच्या काळांत, मुंबय, गोंय, मंगळूर आनी कोची हांगां कोंकणी भाशा मंडळां घडोवपाक फुडाकार घेतलो. ह्यां मंडळाचेवतीन थंय परिशदेची अधिवेशनां घडोवन हाडलीं. मूळ धोरण, संस्था संयोजनाचें आशिल्ल्यान मंडळांक संस्थापक कार्याचे स्वातंत्र्य दिवन परिशदेन आपूण जावन संयोजकाची भूमिका घेतली.

आजय कोंकणी चळवळिची तीच चार मुखेलकेंद्रा

जावंन आसात. परिशदे वांगडा आनी परिशदेबगर कोंकणीचो चड वावर चलता तो ह्याच चार केंद्रानीं. ह्यां केंद्राचे तुळेन हेरकडचीं मंडळा इल्लीं फाटीं पडल्यांत. ह्यां फाटीं उरिल्ल्यां मंडळांक फुडे काडून तांकां कोंकणी चळवळीच्या मुखेल प्रवाहांत हाडपाची गरज आसा. गरज ह्यां केंद्राक बरो फुडार दिवपाची. गरज कोंकणीच्या वावराक ज्यादा बळगें मेळपाची. गरज परिशदेच्या कामात विस्तारीत आयाम येवपाची. एक राश्ट्रीय संस्था म्हणून परिशदेची ही लागणूक थारता. हे लागणूकेन देशांतल्या सगळ्यां कोंकणी संस्थाचो एक महासंघ स्थापन करपाखातीर परिशदेन फुडाकार घेवंचो. परिशदेच्या आसऱ्याखाला उरपी ह्या महासंघावरवीं कोंकणी संस्थाखातीर वर्सभराची कार्यावळ आंखप जातली. ज्यो संस्था सद्या निद्रिस्त आसात तांकां जाग येवंक पावतली ज्यो कार्यरत आसात तांच्या कार्याक नेट येवंक पावतलो. असो महासंघ स्थापन करप हें परिशदेच्या मूळ धोरणाक धरुन जातलें.

मागीर प्रस्न उरता तो लोकांच्या प्रतिसादाचो. हालिंच्या तेपार परिशद वर्सभर कसले ना कसले उपक्रम करीत आसात. लोकांमेरेन पावता. पूण परिशदेक मेळूंक जाय आसलो तितको प्रतिसाद मेळना जाला. परिशद आपूण जांवन फुडें सरता, ते प्रमाण, लोक फुडें सारिल्ले दिसना.

हांचे फाटली सगळी कारणां सांगूंक जावचिंनात पूण एक कारण स्पश्ट दिसता. बरेचशे लोक आदलेवरी कोंकणी चळवळीकडेन एकबांधीलकी म्हणून पळोवंक. मागिनात तांचेखातीर ही चळवळ आतां एक ''वेव्हार'' जाला. तशी लोकांची मानसिकता घडल्या.

आमच्या म्हालगड्यांनी, एक 'मिशन' म्हणूनंच कोंकणी चळवळ चलयली. तांच्या कश्टाचे आनी त्यग्याचें फळ म्हणून कोंकणीक आयचें भाग्य प्राप्त जालें ह्या भाग्याचो फायदो जे कश्टले तांकां व्हडलोसो जालो ना आयचे पिळगेक ताचो चड लाव जालो. कोण शिक्षक म्हणून, कोण लेखक म्हणून, कोण कलाकार म्हणून राज्य आनी राश्ट्रीय पांवड्यार कोंकणी चळवळीच्या भाग्याचो लाभ घेतात. पूण हातुंतले कांयजाण, कोंकणी कडेन पळयतंना, आपणाक नशिबान मेळिल्ली एक 'संद' म्हणून पळयता ते खातीर ते कोंकणी चळवळीकडेन आपली बांधीलकी दवरिना आपणाक 'रोल' आसले बगर ते कोंकणीचे कसले कार्यावळीक हजर राविना. हो 'रोल' य म्हणून तांकां मानापुरतो नाकां मानावांगडा धन (मानधन) जाय अशी तांची अपेक्षा आसता.

वेव्हार करतले वेव्हार करीत रावतले. मिशन चलयतले मिशन चलयतले. दोगांयचो धर्म तो. परिशदेन कोंकणी मिशन लोकांमेरेन व्हरपाचो, आपलो धर्म असोच चालू दवरचो. परिशदेक तिचे समान धर्मी मेळटलेच मेळटले.

कोंकणी मनशांच्या सोदांत : संघटन आनी प्रसार



- लुई रोड्रिग्स, बेळगांव

कोंकणी मनशांच्या सोदांत संघटन आनी प्रसार ह्या विशयाचेर जेन्ना अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या व्यासपिठाचेर संवाद घडून येता तो आयचो हो दीस कोंकणी भाशेच्या इतिहासांतलो एक मोलादीक दीस आसा अशे आमकां म्हणूं येता. परिशदेच्या इतिहासाचेर नदर मारल्यार फाटल्या 27 अधिवेशनां दरम्यान परिशदेच्या सगळ्या अधिवेशनां वोरवीं कोंकणी मनशाचो सोद घेवपाचें कार्य अखंडीत रितीन सुरु आसा अशें म्हणल्यार अतिशयोक्ती जावची ना. कित्याक कोंकणीच्या ह्या म्हामहोत्सवांत चार राज्यांतलीं कोंकणी आवयचीं भुरगीं वांटो घेतात आनी आपल्या अस्तित्वाचें दर्शन घडयतात. व्हय, अखिल भारतीय कोंकणी परिशद आमकां कोंकणी मनशाच्या अस्तित्वांचे दर्शन घडोवन हाडटा. तरी आसतना कोंकणी मनशांच्या सोदांत ह्या विशयाचेर जेन्ना अखिल भारतीय कोंकणी परिशद हो परिसंवाद घडोवन हाडटा तेन्ना आजून लेगीत रितीन कोंकणी मनशांचो सोद पुराय जालो नां हाची रूखरूख परिशदेक आसा हें स्पश्ट जाले बगर रावना. मागीर ह्या विशयांत आमचे मुखार कितलेशेच प्रस्न उप्रासतात ते अशे–

1. कोंकणी मनशांच्या अस्तित्वाचो सोद अजून पुराय जांला कितें ?
2. हो साद पुराय करच्या दिश्टीन कोंकणीच्या मुखेल प्रवाहाचे दुर्लक्ष जालां कितें ?
3. कोंकणी मनशाची खऱ्या अर्थान जनगणना जाल्या कितें ?

आनी ह्या तिनूय प्रस्नांची जाप ना अशीच आसा. मागीर सुरवात जाता तो नियाळ आनी नियाळ केल्या उपरांत जाता ती त्या दिकेन खंबीर पावलां उखलपाचो निर्णय. खरेंच कोंकणी मनशांच्या सोदांत ह्या विशयाचेर खोलायेन भासाभास–नियाळ आनी चिंतन करपाची आनी योग्य ती पावलां उडोवपाची आता खरी वेळ आयल्या. नां जाल्यार कांय वर्सां उपरांत कोंकणी मनशांचो सोद हो फकत संशोधनाचो विशय उरतलो. अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचें 50 वें अधिवेशन जेन्ना जातलें, तेन्ना कोंकणी मनीस देशाच्या चार राज्यांनी वावरतालो हाचेर इंग्लीश भाशेंत संवाद जातलो कांय कितें हो प्रस्न उप्रसता आनी मन खिन्न जाता. हो प्रबंध सादर करता आसतना घाटमाथो, सिंधुदुर्ग, पुणे–मुंबय आनी हेर सुवातींनी राबितो करपी साबारांनी कोंकणी मनशांचो सोद घेवपाचो म्हजो एक नम्र यत्न आसा.

मुखेल प्रवाह आनी घाटमाथो तशेंच सिंधुदुर्गातलो कोंकणी मनीस :

आयज सादारण 350 ते 400 वर्सांचो कोंकणी मनशाच्या स्थलांतराचो अभ्यास केल्यार गोंया थावन घाटमाथो, सिंधुदुर्ग आनी फुडें बेळगांव–धारवाड जिल्ह्यांनी कोंकणी मनशाचे स्थळांतर जालें तो इतिहास आसा. पूण फक्त क्रिस्तावांचेच ह्या दरम्यान स्थळांतर जाले नां, तर सारस्वत आनी दैवज्ञ आनी सिध्दी समाजाचे लेगीत ह्या दरम्यान स्थळांतर जालां. पूण क्रिस्तांव सोडल्यार हेर धर्माच्या आनी समाजाच्या स्थळांतराची खंयसर ठळक नोंद नां हे हांगा चड कळकळीन सांगचें पडटा. आनी हांतुतल्यान आनीक कितलेशेच प्रस्न उप्रासतात. आनी कोंकणी मनशाच्या सोदांत आमी अजून खूब फाटीं आसात ही गजाल आमच्या ध्यानांत आयले बगर राव नां. म्हणून ह्या भागाक कोंकणी मुखेल प्रवाहाच्या भायलो प्रदेश अशें नांव मुद्दाम नमूद करतां. आमच्या समजुती पासोत ह्या प्रदेशाक आनी भायलो प्रदेशच अशेंच म्हणुंया.

भायलो प्रदेश, कोंकणी मनीस आनी संघटन :

ह्या भायल्या प्रदेशांत राबितो केल्ला कोंकणी मनशाची जर जनगणना जाली तर कोंकणी मनशाची छाती अभिमानान फुलतली हातुंत दुबाव नां. ह्या पासोत ह्या भायल्या प्रदेशांतल्या संघटनात्मक स्वरुपाचेर आढावो घेवंचो पडटलो. ह्या प्रदेशांतल्या मनशाची मागीर तो खंयच्याच धर्माचो-जातीचो आसूं सगळीं कुळागरां आनी कुळदैवतां गोंयांत आसात. तांची पाळा-मुळां गोंयांत आसात. तांची आवयभास एकच आसा. संघटनात्मक दिश्टीन चिंतल्यार हो समाज, आपल्या जाती-धर्माच्या आनी प्रदेशांच्या नांवान संघटीत जाला. उदा-क्रिस्तांव वेगवेगळ्या दियोसिर्जीनी आनी पॅरिशांनी संघटीत जाल्यात. सारस्वत आनी दैवज्ञ समाजाच्यो आपल्यो आपल्यो संघटना आसात. सर्व साधारणपणान नदर उडयल्यार ह्या सगळ्यांचो वावर कोंकणींत चलता. पूण फाटल्या इतिहासाचेर नदर मारल्यार हे तिनूय समाज कोंकणीच्या छत्राखाल केन्नाच एकठांय जाले नात हाची खूब खंत दिसता. आपल्या आपल्या दैनंदीन वावरांनी आनी वेव्हारांनी हे तिनूय समाज गुल्ल रावले. कोंकणी मनीस म्हणून एक संघ जावपाचे यत्न केन्नाच जाले नात. ही एक व्हड हुस्क्याची गजाल आसा. हें अशें कित्या जालें हाचेर एक वेगळी चिंतप बसका वा चिंतन परिशद जावपाची गरज आसा.

ह्या प्रदेशांतली कोंकणीची धुरा जाणीं घेतल्या वो घेतल्याचें सवंग केलां, तांचे यत्न उणे पडले कितें हो एक प्रस्न हांगा उप्रासले बगर राव नां. बेळगांव, सिंधुदुर्ग, कोल्हापूर, धारवाड अशे चार सलग्न आशिल्ल्या जिल्ह्यांचो आनी थंयसल्ल्यान पुणे, मुंबय आनी बेंगळूर हांगा स्थळांतरीत जाल्ल्या कोंकणी मनशाची जनगणना केल्यार ही संख्या दोन ते तीन लाखां मेरेन पावंक शकता असो म्हजो अदमास आसा. हातूंत खानापूर-जोयडा आनी परिसरांतल्या कोंकणी उलोवपी कुणबी समाजाचो लेगीत विशेश रितीन उल्लेख करचो पडटलो.

संघटनात्मक दिश्टीन चिंतप केल्यार कोंकणी मनशांच्यो वेगवेगळ्यो संघटना फाटल्या साबार वर्सांनी कार्यरत आसात. वयर सांगल्या बाशेन सारस्वत आनी दैवज्ञ समाजाच्यो बेळगांव, बागलकोट आनी हेर सुवातींनी संघटना आसात ज्यो कोंकणी भास आनी संस्कृताय जिवी दवरपाचो निरंतर रितीन वावर करतात. तांची आमी दखल घेवकं जाय आनी तांची तोखणाय लेगीत करुंक जाय. कित्याक तांच्या ह्या कोंकणी स्वभिमाना पासोत तर कोंकणी भास जिवी उरल्या. फाटल्या कांय वर्सांनी कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकादेमीन ह्या समाजाच्या सोदांत सध्यांचे अध्यक्ष कुंदापूर नारायण खारवी बाब हांच्या नेतृत्वाखाला सगळ्या कर्नाटकांत ज्या ज्या सुवातींनी कोंकणी मनीस आसा तांच्या सोदांत वचून थंयसर कार्यावळी घडोवन हाडपाची मोहीम काडिल्ली. ह्या दरम्यान उत्तर कर्नाटकांतल्या कितल्याश्याच कसब्यांनी आनी शारांनी जंयसर दैवज्ञ आनी सारस्वत तशेंच कांय अंशी कोंकणी क्रिस्तांव समाजाचें अस्तित्व आसा थंयसर कार्यावळी घडोवन हाडून कोंकणी जागर येवजिल्लो. खारवी बाब हांच्या ह्या यत्नाची आमी तोखणाय करता आसतना ताचें अनुकरण करप गरजेचें आसा.

प्रदेशांतल्या क्रिस्तांव कोंकणी समाजा मुखार इंग्लिशेचें आव्हान :

फाटल्या 340 ते 400 वयर वर्सांनी ह्या प्रदेशांत राबितो केल्ल्या कोंकणी क्रिस्तांव समाजान आयज मेरेन तरी कोंकणी शाबीत दवरल्या. बेळगांव, सिंधुदुर्ग आनी परिसरांतल्या तशेंच कोल्हापूर जिल्ल्यांतल्या आजरा, गडहिंग्लज आनी भुदरगड तालुक्यांतले क्रिस्तांव आयज बरे बाशेन कोंकणी भास उलयतात, एकामेका कडेन उलयताना कोंकणीच उलयतात, गोंयच्या सायबा कडेन, सां फ्रान्सीस शावेरा कडेन दर वर्सा पादयात्रेवोरवी ते दर्शनाक वयतात. आपल्या आपल्या कोमुनिदादींनी आपलीं नांवां नोंद करुन तांणी गोंया कडेन आशिल्लें आपलें नातेसंबंद शाबीत दवरल्यात. अभिमानाची गजाल म्हणल्यार चारी दिकांनी मराठी वा कन्नड भासांचे अस्तित्व आसतना लेगीत ह्या प्रदेशांतल्या ल्हान ल्हान कसब्यांतले लोक एकमेका कडेन कोंकणींतच वेव्हार करतात. हाचीं दोन उदाहरणां म्हणल्यार बेळगांवच्या खानापूर तालुक्यांतले कांय गांव आनी कोल्हापूरच्या आजरा-गडहिंग्लज परिसरांतले कांय कसबे. ह्या सगळ्या कसब्यांच्या कोंकणी भाशिकांक सोदून काडपा खातीर आनी तांची वळख कोंकणीच्या मुखेल प्रवाहा कडेन

करपा खातीर एक व्हडली मोहीम काडप खूब गरजेचें आसा.

पूण गोंया बाशेन आतां ह्या प्रदेशांतूय आक्रमण सुरु जालां. चड करुन बेळगांव शारांतल्यो सगळ्यो धार्मीक आनी सामाजीक कार्यावळी इंग्लीश भाशेंत जावपाक लागल्यात. सगळ्यांक इंग्लीश कळटा म्हणून न्हय, तर हें फुक्या स्वाभिमाना पासोत जावपाक लागलां हें सांगताना खूब दुख्ख भोगता. बेळगांव, कोल्हापूर, धारवाड शारांनी कोंकणी क्रिस्तावांचें सर्वाधीक अस्तित्व आसतना लेगीत आयज सगळ्यांक आपल्यो कार्यावळी इंग्लीश भाशेंत जाल्ल्यो जाय. हाची खूब खंत दिसला. संघटनात्मक प्रयत्नांनी जर आमी कोंकणीचो जागर केलो ना तर कोंकणी भास ह्या प्रदेशांत फकत कांय वर्सांचीच सोयरी म्हणून उरतेली हाची खंत दिसता. आनी प्रस्न उप्रासता तो कोंकणीच्या प्रसाराचो आनी प्रचाराचो.

ह्या प्रदेशांत जशो सारस्वत आनी दैवज्ञांच्यो संघटना आसात, तश्यो पुणें, मुंबय आनी हेर सुवातींनी मंगळूरकारांच्यो आनी मंगळूरकार क्रिस्तांवांच्यो लेगीत संघटना आसल्यो आनी आसात. पूण ह्या संघटनांनी फकत सांस्कृतिक आनी सामाजिक कार्यावळी पुरतेंच मर्यादीत आसा. आयज हातूंतल्यो कितल्योश्योच संघटना पुराय रितीन कार्यरत नात. पूण कोंकणी संवर्धनाच्या दिश्टीन कांय आशेचीं किर्णां दिश्टी पडपाक लागल्यांत. हातूंत फाटल्या 13 वर्सां थावन उजवाडाक येवपी उजवाड म्हयनाळ्या वरवीं कोंकणी भाशिकांच्या एकवोटाचें आनी जागृतायेचें कार्य अखंडीतपणान सुरु आसा. पुण्यांत फाटल्या 7 वर्सां थावन आल्फी मोंतेरो, पीटर डिसोझा अश्या कांय मानेस्तांनी घाटमाथो आनी प्रदेशांतल्या स्थळांतरीत जाल्ल्या कोंकणी भाशिकांच्या एकवोटा पासोत सुरु केल्ल्या पुणें कोंकणी क्रिस्थसभे वोरवीं कोंकणी भास आनी कोंकणी अस्मितायेच्या आनी ही भास फुडले पिळगे मेरेन पावयचें मोलादीक कार्य सुरु आसा. मुंबय लेगीत अशी एक संघटना जावपाची गरज आसा. ह्या पासोत हांगाच्या आमच्या तरणाट्यांची आनी फुडाऱ्यांची बसका घेवन तांची उर्बा वाडोवप खूब गरजेचें आसा.

हय, मारवाडी आनी गुजराती समाजान साधिल्ले प्रगतीचें मूळ हें त्या समाजान आपली भास आनी संस्कृताय हांचेशीं दवरिल्ले निश्ठेंत आनी स्वाभिमानांत लिपला हाची म्हाका प्रखर्शान जाणवाय जाता. म्हजो कोंकणी समाज जरी चार राज्यांनी शिंपडला. आयज कोंकणी परिशदेन हो परिसंवाद घडोवन हाडलो तरीय मुखेल प्रवाह थावन पयस आशिल्ल्या कोंकणी मनशांच्या सोदांत परिशदेन आपल्या कार्यावळीं वोरवीं पावप गरजेचें आसा. ह्या भायल्या समाजांतल्या वावराड्यांक परिशदेचेर आस्पाव करुन घेतल्यार अधीक बरें जातलें. आपल्यो कांय कार्यावळी ह्या भायल्या प्रदेशांत घडोवन हाडप लेगीत गरजेचें आसा.

कोंकणी मनशांचे सोदांत - संघटन आनी प्रसार

- आल्फी मंतेरो, पुणे



ह्या सभेमुकार अेक पुणेकर ह्यां नात्यांन माकां सांगूक अभिमान दिसता की आमच्या मोगाच्या कोंकणी भासेंतले पयलें नेमाले पुण्यांत उजवाडांक आयले. तो दिस असलों 2 फेब्रेर 1889 म्हळ्यार सामकें 123 वर्सां आदी ताच्या फाटल्यांन बरीचशी नेमाळी वृतमान पत्रां मुंबय, गोंयं, मंगळूर तान प्रसिध्द जावंक लागळींत पून पयलो मान पुण्याचोंच त्या नेमाळ्यांचे नांव ''उदेंतेचें साळक''हाचो स्थापन करपी म्हान मनीस आदुआर्दु ब्रुनेद साण (1837-1905) मानेस्त आदुआर्द द सौजा हांनी कोंकणी भासेंची सेवा हेर प्रकारांत केली. तानी कोंकणीचे व्याकरण उजवाडांक हाडंले त्याचवशेन कथा, काणयो, कविता बरंयली पून ते फामाद जालेंत ते ''अेव आनी मोरी'' ह्यां म्हाकाव्यांक लागून अेक हजार अेक वळींचे हे म्हाकाव्य आसलें.

आतां एक नदर मारुंया, पुण्यांत कोंकणी मनशांचे वावुर कसो कसो जायत गोलो तांचे स्थलांतरण केन्ना केन्ना जालें.

पुणे शाराची वसणुक जरी नव्या शेंकड्यांतली असली पून तीचो वाड आनी विस्तार पेशवाई स्थापन जाल्यांपासूनच जाल्यां. 1713 वर्सांत छत्रपती शाहूमहारांजानी बाळाजी विश्वनाथ भट हांची पेशवेपदावयीर नेमणूक केली हे बाळाजी विश्वनाथ श्रीवर्धनचे म्हाळ्यांर आताच्यां रायगड जिल्ल्यातंले तांच्या फुडच्या पिळगीतल्यां पेशव्यानी मराठी साम्राज्य बरेंच विस्तारले. शाराचे एक म्हत्वाचे राजकीय केंद्र म्हून उदय जालो. पेशव्यांच्या राजवटींत रत्नागिरी आनी रायगड म्हळ्यांर उत्तर कोकणातल्या मनश्यांचो वावुर वाडूंक लागलो. हांतुले भवतांश लोक कोकणस्थ आनी कराडे बामण असलेंत. शणै गोंय बाब बर्वे वामन वालावलीकर हांनी ठांसून सांगल्या सारके ह्यां उत्तर कोंकण आनी खवर्देरेंली कोंकणी होचो किते सबंद ना कोंकणी मनशांचो पयलो वावुर सवाओ माधवराव पेशव्यांच्या काळात सुरु जालो. (कार्यकाळ १७७४ - 1795) 1785 वर्सांच्या फुडें फाटी दॉम मिंगेल नोरेंज नांवाचो अेक पुर्तुगीज आफीसर पेशव्यांच्या सैन्यांत असलो. ताच्या पलटणींत ताने हाडुल्ले गोंयातले तशेंच कारवार वाटारांतले क्रिस्तांव सैनीक असलेंत ह्यांच दॉम मिंगेल नोरेंजनी गोयंच्या आर्सेबिस्मांक (आर्चबिशप) केल्ल्यां विनंती लागून 1790 वर्सा पाद्री विन्मेंत ज्योक्यीम मिनेजीस पुण्यांत पांवलो - क्रिस्तांव विन्सेंत सैनिकांच्या धार्मिक कार्यवाळी पासोंत. ह्या पुर्तुगीज ऑफसिरच्या घरांत मिस आनी हेर धार्मिक कार्या चलतालींत ह्यांच सुमारांक सवाई माधवराव पेशव्यांनी थोडीशी भूंस दान केली ह्या सुवातीवर्यार 1792 वर्सांतले नतालाचे फेस्त आनी मिस झाले दॉम मिंगले नोरेंज हानी आपल्या सैनिकांकडल्यान पटी काडून ह्या जमिनीवयीर एक कपेल बांदले ते वर्स असले 1794 माका सांगूस खोस जातां फाटली 218 वर्सा ह्या भुयीवयीर बांदलेल्या इंग्रजींत आयीजमेरेन कोंकणी भाशेंत मिस आनी शेरमांव जाता. पेशव्यांनी केल्ल्या उपकारांक लागून ह्यां इग्रजीवयीर पेशव्यांच्ये मानचिन्न 'जरी पटको ' कोरल्ले असा.

फुडें 1818 वर्सां ब्रिटीश ओस्ट इंडिया कंपनीन पेशव्यांचो पराजय करून पुणें शार ताब्यात घेतले पुणे परीसरांत इंग्लीश लशकरांचे तळ उबें रावलें लश्करी छावणीक लागून जायत्या गोंयकारांक नोकरीची संद मेळ्ळी 1840 ते 1850 मेरेंन पुण्यांत गोंयकार क्रिस्ताव कोंकणाच्यो वावुर चडसो असलो 1860 वर्सांफुडे ब्रिटीश राज्य स्थीर जावंन रेल्वे, पोस्ट रेवेन्यू हेर खात्यांचो विस्तार वाडांत गेलों तशें तशे गोंयाभायल्या कोंकणी मनश्यांचो मंगळूर तशेंच कारवार वाटारांतल्या लोकांचो प्रवेश जालों आतां हिंदू कोंकणी लोकांचे प्रमाण वाडोंक लागले.

पयले महायुध्द 1914-1919 वेळांर ब्रिटीश लश्करांचो विस्तार ॲम्युनिशेन फॅक्टरींक लागून बरोंच वाडलो तस तसो कोंकणी मनश्यांचो वावुर वाडलो फुडें पुणे

एक शिक्सणाचे आनी ज्ञानाचें म्हत्वाचे केंद्र जालें ताकां लागून धर्मानंद कोसंबी, महादेवशास्त्री, जोशी, कत्रे, बुदवंत कोंकणी मनीस पुण्यांक पावंक लागलो. दुसरे महायुध्दांच्या काळांत (1939-1945) नोकरीची संद चडच वाडली. ह्या सुमारांक गौड सारस्वत, चित्रापूर सारस्वत आनी दैवज्ञ ब्राह्मण, वैश्य वाणी कोंकणी ची संख्या वाडत गेली.

1960 च्या सुमारांक पुण्याचे उद्दगीकरण जावक लागले. कारखानदारी आनी उद्योग धंदे वाडीक लागले. टाटा, बजाज, किर्लोस्कर तशेंच जायते जर्मन आनी युरोपीयन कारखाने पुण्यांत उबे रावलें. तशेंच एन.सी.एल., एन.डी.ए., एच.ए., सी.एम.ई. सारक्या नामेनेच संस्थेक लागून कोंकणी मनश्यांचो वावूर खूपच वाडलो आता मंगळूर कारवार बशेंम, बेळगांव, सिंधूदुर्ग, कोल्हापूर वाटरांतले कोंकणी तरणाटे पुण्यांत पावोंक लागले.

स्थलांतरणाचे फुडलो टप्पो 2000 सालांतलो जेन्ना इलेक्ट्रॉनीक युग सुरु जाले. पुणे एक नामानेचें आय.टी. शार म्हून फामांद जावंक लागले नव्या पिळगीचे उच्चशिक्सीत इंजेनरांची वस्ती पुण्यात वाडोंक लागल्या पून हे आय.टी.क्षेत्रांतल्या मनश्यांचे पुण्यांत स्थायीक जावंचे प्रमाण कमींच हा 2/3 वर्सांत तांका अमेरिका नातर हेर परदेसांत वेवंची सद मेळता नातर सपना पडूक लागतात.

वयल्या विवेचनावयल्यान कोंकणी मनशांच्या पुण्यांतल्या वसणुकीचे चार टप्पे दिसतांत.

पयलो टप्पो – 1790 ते 1840 मेरेनचो – गोंयकार क्रिस्तांवाची वसणुक.

दुसरो टप्पो – 1840 ते 1910 मेरेन– रेल्वे पोस्ट, रेवेन्यू खातातंल्या संदीकलागुन हातुंन गोंया भायले कोंकणी मनीस पावूंक लागले.

तिसरो टप्पो – 1910 - 1960 मेरेन – ॲम्युनेशन, मिलट्री तशेंच शैक्शणीक मळार वावुर गौड सारस्वत, चिमापूर सारस्वत, दैवज्ञ बामणांचे आनी कुणबी, भंडारी लोकांचो वावोर व्हड प्रमाणांत

चौथो टप्पो – 1960 - 2000 मेरेन, उद्देग, कारखानदारी हांच्या विस्तारांक लागून सिंधूदुर्ग, आनी घाटमाथ्यावयल्या कोंकणी लोकांचो प्रवेस सुरु जालो कारवार आनी मंगळूर वाटारांतल्या लोकांचे देकून स्थलांतरण वाडले विशेश करुन बैकींग आनी होटेल वेवसायांत हांचो वाटो मोलदीक असलो.

नियाळ अनी चिंतन केल्यावयीर अशें दिसता :-

पुणे शारांत कोंकणी मनशांचो वावुर दोन शेकड्यावयीर हां जनसंख्या देकून लाखावयीर जातेली पून ह्यो कोंकणी उलयणारो समाज केन्नाच एकजिनसी पणांन रावूंक ना कोंकणी आवयभास असून देकून तिच्या झेंड्यासकल केन्नाच एकवोटान येवंक ना तो आपापलया गुटांत रावंक समादान मानतां. धर्म, भोसेंचो मोड, मुळांवे वाटार हांतून तो आपणाक विभागून घेतां. दुसऱ्या पंगडा वांगडा तो फटकारुन रावंता सबंद वाडोवंक हात फुडें करना हिंदू आनी क्रिस्तांव केन्नाच एका माचीवयीर पावंनांत हिंदू कोंकणी, भाव आपल्या भोवतांक गौड सारस्वत, चिमापूर सारस्वत, दैवेज्ञ बामण, भंडारी अशी कुंपणा घालुन त्यागोटांमूच वावरतांत क्रिस्तांव भांव देवून धार्मिक सुवाळ्यांक एकवोटांन येतांत पून सामाजीक आनी सांस्कृतिक कांर्यावळीत गोंयकार, वाडीकार, घाटमाथ्यावयले, मंगळूरकार असो वेगळो बावटो उबो करतात.

सगळ्यांन हुसक्याची गजाल म्हळ्यांर एक नातर दोन पिळगी पुण्यांत रावुंलो कोंकणी मनीस आवयभास इसेरता क्रिस्तांवांक इंग्लीश भास लागची आनी कोंकणी भास परकी आनी हेंगाडी दिसूंक लांगता त्याबशेनच हिंदूभाव देकून कोंकणीक पर्यास करून मराठी भासेक आवयभासेंचो मान दितांत

इंग्लीश आनी मराठी भासेंच्या घुरीवयीर कितें इलाज करचो हाचो नियाल अखिल भारतीय कोंकण परिशदेंन करचे म्हत्वाचे आनी गरजेंचे हां पुण्यांतल्या कोंकणी मनश्यांक मुखेल प्रवाहांत हाडचे काम आता अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेने तातडीनं करतेली हातुन दुबाव नां.

आतां थोडीशी नजर पुण्यांत वावुरपी कोंकणी मनश्यांची संघटनावयीर कोंकणी क्रिस्तांवाच्यो 5 गुट पुण्यांत हात.

1) सगळ्यांत आदलो आनी वरिश्ट संघ म्हळ्यार पुणे गोअन इन्स्टीट्युट – 1904 सालांत 'द फ्रेंडस युनियन ह्या नावांन सुरु जालो. फुडल्यांच वर्सा 1905 मदें हांचे नामांतर 'द अँग्लो गोअन इन्स्टीट्युट ' अशे जाले. 1911 सालांत तिचे परत एकादा नांव 'अँग्लो पोर्तुगीज इन्स्टीट्युट' अशे जालें आता प्रचालित असलेले नांव 'पुणा गोअन इन्स्टीट्युट'

1942 वर्सां दिले गेलें गोंयतांन आयील्ल्या क्रिस्तांव समाजांचे हे संघटन. त्यावेळांर समाजाक एकवोटान हाडतेले म्हत्वपूर्ण काम ह्या संघटनेन केलें. तियात्रांचे आयोजन,नाताळ, कार्नीवल सारके सुवाळे पी.जी.आय करतालें. इंग्लीश शिक्सण आनी भासेंच्या प्रभावांक लागून बरोचसो गोंयकार क्रिस्तांव कोंकणी भासेंक दुरावला. ह्याघडीक ह्या नामेनाच्या संस्थेचो वावुर चडसो क्लब म्हणून जावंक लागला.

2) कारवार कॅथलिक असोसिअेशन ची स्थापना 1961 वर्सांत जाली 100 रा वयीर कुटुंबा ताचे सभासद हांत आनी दरवर्सां १५ ऑगस्ट दिसा एकवोटान येतात एकमेकांक दुःखाच्या/मरणाच्या वेळांर आदार दिवंचो इतलो मर्यादित उद्दीश्ट

3) मॅगलोर कॅथलीक असोसिअेशन ची सुरवात 1996 वर्सा जाली 180 च्या वयीर मंगरुळकर तिचे सभासद जावंन असात दरवर्सा ८ सप्टेंबराक ते मोंती फेस्त व्हड दबाजान मनयतात सांस्कृतिक कार्यक्रम जाता.

4)'कोंकण मित्र'- पेपल सेमीनरी, ज्ञानदीप विद्यापीठ ही नामानेची धार्मिक शिक्सण दिणारी संस्था पुण्यांत हां. पाद्रीपणाचें शिक्षण घेवूक आयील्ले कोंकणी तरणाटे ही असोसिअेशन - मंडळ चलयतांत नेमाळ्यांत कांणयो, कविता लेख छापून हाडतांत सांस्कृतिक कार्यवळी करुन कोंकणीचे अस्तीत्व विद्यापीठांत जपतात तांचो वावुर सेमनरी पुरतोंच मर्यादीत हा.

5) पुणे कोंकणी क्रिस्थ सभा - 2004 वर्सां सुरु जाल्ली ही संघटना तिचे 600 फॅमिली सभासद हांत. बेळगांव, कोंल्हापूर, सिंधूदुर्ग वाटांरातल्या लोकांचो वावुर हांतुन अदिक हा कला, साहित्य हांचे योगदान ना पून कोंकणी उलयणाऱ्या समाजांक एक वोटान हाडतेले म्हत्वपूर्ण कार्यावळ घडल्या म्हून हरकत ना

थोडासो विचार केल्यावयीर अशे दिसता कोंकणी भासेच्या मोगान एकवोटान आयील्ल्यो ह्यो संघटना कितले दीस चलतेलींत ह्यांचे भेंय दिसता. नव्या पिळगीक कोंकणीची आस ना, ओड ना म्हून ह्यो संघटनांचो जीवीत मर्यादित दिसता दुसरे म्हळ्यांर ह्या संघटनांचे आस्तित्वाची दरवळ अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेने केन्नांय घेवक नां. तांका थोडोसो तेंको दिलो, मार्गदर्शन मेळले आनी कोंकणीच्या मुखेल प्रवाहान हाडले तर पुण्यातल्यो संघटना बळीवूट जातींत. अयीक फुलतींत हातुन दुबाव ना माकातर अशे दिसता की अ.भा. कोंकणी परिशदेंक पुण्यांत कोंकणी मनशांचो वावुर मनीस हांचो दखलच घेवक ना लाखकावयीर कोंकणी मनीस हांगां रावता हाची खबर कोंकणी परिशदेन केन्नाच घेवंक ना हाचें वायट दिसता. मंगळूरतान प्रसिद्द जातेल्या 'राखणो', 'उमाळो' तशेंच बेळगांवच्या 'उजवाड नेमाळ्यांक लागून थोडोतरी कोंकणी भासेचो संपर्क रावंला.



बोळंतूर कृष्ण प्रभूंचे चंद्रहास नाटक : फाटभूंय आनी प्रेरणा - गुरुदत्त बंटवाळकर

बोळंतूरू कृष्ण प्रभून कोंकणी नाटक चंद्रहास बरोवन शंबर वरस भरलें हें ह्या नाटक कोंकणीचे पयल्यानपयले प्रकाशित जाल्लेले नाटक म्हणून आजी आमी मानतात. शंबर वरस पयले मंगळूर प्रांत्यांतले एक ल्हान गांव बंटवाळांत बयसून बोळंतूरू कृष्ण प्रभून ह्या नाटक बरोवका जाल्यार त्या काळार ताका मेळ्ळेले साहित्यीक आनी सामाजीक उमेद कसल्यो म्हणून अध्ययन करचे ह्या प्रबंधाचो उद्देश जावन आसा. आनी ह्या खातीर त्या काळाचे म्हळ्यार बोळंतूर कृष्ण प्रभूंचे जल्म इसवी अठराशें आंयशी आनी दोन (1882) दाकून चंद्रहास नाटक रचन जाल्लेले एकुणीसशें बारा इसवी (1992) मजगतींत बंटवाळ तथा मंगळूर प्रांत्याचे साहित्यिक आनी सामाजीक परिगतींचे एक नियाळ घेवका पडता.

ह्या काळगतीक कन्नड साहित्याचे नवोदय काल म्हणतात. आनी ह्या काळगतींत रचन जाल्ले साहित्याक नवोदय साहित्य म्हणतात. आनी म्हाका सांगातां सांगातां अभिमानूय भोगता आनी निराशाय जाता की ह्या आख्या कन्नड नवोदय साहित्य फुडाराक व्हेलेले मंगळूरकारांचे नांवां पळयता जाल्यार तांतूंचे नवद प्रतिशत लोक कोंकणी मनीस. कन्नडांत पयल्यानपयले मोटवी काणियो, लळीत प्रबंध, हास्य साहित्य, बाल साहित्य बरयिलो पंजे मंगेश राव,

नवकन्नड काव्याक आवय पाळशें आंगल कविता सार बरोवन पयल्यानपयले कन्नडांत सोनेट रचन केल्लो हंगडी नारायणराव,

कन्नडाचे पयले सामाजीक कादंबरी इंदिरा बायी बरयिलो गुलवाडी वेंकटराव, रोहिणी कादंबरी बरयिलो गुलवाडी अण्णाजिराव, वागदेवी कादंबरी बरयिलो बोळार बाबुराव.

कन्नडांत पयल्यानपयले वैजकीय चिकित्सा ग्रंथ रचयणार भारद्वाज शिवराव, भूगोळाचे पुस्तक बरयिलो चंदावर गणपय्या, वकलात विशयार पुस्तक बरयिलो डोंगरकेरी सुंदररामराव, गणीत, ज्यामिटरी आनी ट्रिग्रामिटरी पुस्तक रचयणार केळ देवराव,

कन्नडाचे पयलेवयले नांवांचे कोश पुराणनाम चूडामणी बरयणार बेनेगल रामराव, आनी राष्ट्रकवी म्हणोन घेवन कन्नड साहित्य इतिहास, कन्नड भाषाभिवृध्दी, बृहत प्रमाणांचे संशोधन केल्लो, आनी प्रास नाशी काव्य बरोवयेत म्हणून कन्नड साहित्यांत नवीन पंक्ती घालून दिल्लो मंजेश्वर गोविंद पै.

माका अभिमान भोगता की हें सकड लोक कोंकणी मनीस म्हणून, जाल्यार माका निराशाय जाता की ह्या लोकांनी आवय भास कोंकणींत बरयिले जाल्यार त्या काळ कन्नड साहित्याचे न्हंय कोंकणी साहित्याचे नवोदय काळ म्हणोन घेताशिल्लो. असले घडघंज मेधावी साहित्यिक कोंकणी मनीस कन्नड भाशेंत साहित्य रचन करुन प्रसिद्ध जायते काळार, तांका फाटिंबो कसोसो जावन सुवासिनी, स्वदेशाभिमानी आनी कंठीरव म्हणचे कन्नड पत्रां चलयणारय कोंकणी मनीसच आशिल्ले. हे जाल्लें साहीत्यीक नियाळ आतां आमी पळोवया त्या काळाची रंगभूंयी.

मंगळूर प्रांत्यांत त्या वेळाची रंगभूमी (1892-1920) त्या वेळार दक्षिण कन्नडाचे रंगभूंयी दोन तरेची आशिल्ली. एकी पारंपारिक लोकनाट्य यक्षगान. रातभर चलचे यक्षगान चड करुन गांवांनी चलतालें. ताका गांवटी शेतकार कामगार प्रेक्षक आसतालें. दोनिचे पूना, सांगली, अंकोले

दाकून येवचे मराठी आनी बेंगळूर मैसूर दाकून येवचे कन्नड कंपनी नाटकांचे प्रेरण या ग्रूप. नाटकां शेरांनी चलतालें आनी हाका चडकरुन पालव आनी प्रेक्षक दोनूंय व्यापारी लोक दितालें.

मंगळूर प्रांत्याचे नाटक रंगभूंयिचे पयलो दाखलो कोंकणी मनशाचोच आसा. 1892 इसवेंत मंगळूरचे दत्तात्रेय देवळाचे मुखार श्री नारायण भ–म्हणचो कोंकणी मनशान ताचे वांगडिंक मेळोन दत्त जन्म आनी संत तुकाराम हे दोन मराठी नाटकां खेळयलीं. मागिरचे वीस–तीस वरसां म्हळ्यार अठराशें नवद आनी दोन ते इकुणीसशें वीसव्या इसवी मेरेनच्या काळगतीचे मंगळूर प्रांत्याचे नाटक रंगभूंयी, सगळे कोंकणी मनश्यांचे हातातळांत आशिल्ले. (शाबू साहेबांचे अलेकसांडरा थियेटरिकल्स कंपनी हे एक मात वेगळे लोकांची.)

बसरुरचे कलवंत समाजाचे मंडळा धरुन कार्कळचो सारस्वत बामण केशव हेगडे आनी नारायण हेगडे, विटलाचो मंजुनाथय्य, प्रसिद्ध चित्रनटी फंडरिबायिचो बापूस रंगराव, हनमंताले पात्र करुन प्रसिद्ध जाल्लो मूडबिदरेचो माधव शेणै, मंगळूरचे नच्चपाळ, कुंदापुरचो वेंकटरमण प्रभू अशें वेगवेगळे कोंकणी मनश्यांनी ही रंगभूंयी फुडाराक व्हेल्ले. ताका पालव दिल्ले गिरेस्त कोंकणी व्यापारींनी. जाल्यार तांनी खेळचे नाटक आशिल्ले चडकरुन कन्नड आनी कांय मराठी भाशेंचे.

इत्याक कोंकणीत बरयलें ? अशें कन्नड साहित्याचे आनी कन्नड रंगभूंयिचे फलवत क्षेत्रांत सगळे कोंकणी मनीस तांचे प्रतिभा घोळ्यता आसताना बंटवाळचो एकमात बोळंतूर कृष्ण प्रभून कोंकणींत नाटक बरोवन खेळोका जाल्यार त्या खातीर ताका एक जबरदस्त उमेद मेळून आसूंक जाय अशेंच म्हणका. ते उमेद कितें म्हणून पळोवया. आमचे काम सुलभ करुन दिवचे खातीर स्वयं बोळंतूर कृष्ण प्रभूनच चंद्रहास नाटकाचे प्रस्तावनांत अशें बरयला.

साबार काळ दाकून मुल्याक (कोनशाक) मेळयिली कोंकणी भास अभिवृध्दीक हाडूंक सुधारकां अपेक्षा करतात आनी ताका प्रयत्नांय करतात म्हळेली ही संतोसाची खबर आयकून कोंकणी मातृभास जावून आशिल्या वर्गांत जल्माक आयिल्याक अल्प स्वल्प जाल्यारीय त्या मातृभाशेची सेवा करका म्हळेले उद्देशान हें नाटक बरोवचाक प्रारंभ केल्लो. ह्या उतरांत दोन विचार आसा. एक उद्देश आनी एक प्रेरणा. उद्देश स्पश्टतायेन ताणें बरयलां–आपण्याली मातृभाशेची सेवा–हो ताचो उद्देश. आनी प्रेरणा कितें ? हांव तुमची नदर परत एकफावटी त्या उतरांचे वयरी तांडतां. कोंकणी भास अभिवृद्धीक हाडूंक सुधारकां अपेक्षा करतात, आनी ताका प्रयत्नांय करतात म्हळेली ही संतोसाची खबर आयकून ताणे सांगिल्यावरी ताचे भितर उमेद भरलेली ती संतोासाची खबर कसली ?, आनी ते वेळार कोंकणी भाशेचे अभिवृद्धी खातीर प्रयत्न करपी सुधारकां कोण, तांचे नांव कित्याक बोळंतूर कृष्ण प्रभून उल्लेख करुंक ना ?

बोळंतूरु कृष्ण प्रभुचे परिचयात्मक ल्हानशें एक पुस्तक बरयिलो कन्नड साहिती निर्पाजे भीमभटअशें म्हणता. इकुणीसशें बारा इसवेंत अम्मेंबळ सुब्रायपैले अध्यक्षतेर मंगळूरांत चलेल्ले कोंकणी परिषताचे प्रेरण घेवन बोळंतूरु कृष्ण प्रभुलें कोंकणी सेवा प्रारंभ जाल्ली म्हणून आपण्याले पुस्तिकेंत सांगता. जाल्यार मंगळूरांत इकुणीसशें बारा (1912) इसवेंत खंचेय कोंकणी परिषत जाल्लेले पुरावो मेळना आनी कोणाले अध्यक्षपणाखाल परिषत चल्ले म्हणून बरयता तो अम्मेंबळ सुब्राय पै इकुणीसशें नौ इसवेंतूच मरण पाविल्ले निमित्त हें उतर सार्के न्हंय म्हणून आमका कळता.

1. सामाजीक प्रेरणा :

कोंकणीची ल्हान पणती कन्नडाचे साहित्यिक सांस्कृतीक उजवाडान लखलखचे आख्या मंगळूर प्रांत्यांत एक मनिस आशिल्लो, कोंकणीची एक ल्हानशी पणती घेवन गांवा गांवा भोंवतालो. कोंकणी लोकांची बस्ती आसची हर गांवांत वचून कोंकणीन हरिकथा करतालो, समाजांत विधवा विवाह इत्यादी वैचारिक सुधारणे खातीर कोंकणिंत उलोवपा दितालो, आनी कोंकणी भाशेंत पयल्यानपयले भगवदगीताचे अणकार करुन जैं मेळता थंय कोंकणिचे शिळोकांक गायतालो. ताचें नांव आसा बंगलेकार नारायण कामती, मुल्की गांवांचो.

बंगलेकार नारायण कामती त्या काळाचे सामाजिक फाटभूंयेर एक महत्वाचो मनिस. मंगळूरांत इकुणीसशें आट (1908) वरसाचे अप्रेल वीसते बावीस मेरेन मानेस्त अम्मेंबळ सुब्राय पै हांचे अध्यक्षपणारी एक संयुक्त सारस्वत परिषद चल्ले. म्हणतात ह्या परिषदेचे फाटल्यान बंगलेकार नारायण कामतिनी खूब काम केला. माका ह्या परिषदेचे कार्यावळीचे एक ल्हान पुस्तिका डॉ. कस्तूरी मोहन पै हांनी दिलां.

ह्या पुस्तिकाचे प्रकार ह्या परिषदेंत उत्तर कन्नड, बेळगांव, श्यापुर, मैसूर, मलबार, कोची, तिरुवांकूर आनी मद्रास दाकून आयिले एकशें सत्तर आनी पांच (175) प्रतिनिधी आशिल्ले. ह्या सभेंत समाजाचे सुधारणेचे खातिर घेतिल्ले हेर निर्णयांपैकी कोंकणी भाशेचे परिषकार करका म्हणचे महत्वाचे निर्णय अंगीकार जाल्लेले दिसून येता.

माका दिसता निर्पाजे भीमभटान इकुणिसशें आठ इसवेंत चलेल्ले सारस्वत परिषदेकच कोंकणी परिषद म्हळा जावयेत. आनी इसवेंत तो चुकून आसूक फाव आसा. तेच परिषदेंत बंगलेकार नारायण कामतिंनी आपणेन कोंकणी भाशेंत अणकार केलेल्या भगवदगीतेचे कांय श्लोक वाचले अशें उल्लेख आसा. म्हणतेन्ना बंगले नारायण कामत करनाटकांतलो वीसावे शेकडेचो पयले दशकांतलो कोंकणी कवी जावन उभरुन येता हाजे खातीर आमचे लागी इकुणीसशें आठ इसवीचो पुरावो मेळटा. बंगले नारायण कामतीलें गीता अणकार गीतामृत साकी ताचे मरणाचे तीन वरसां उपरांत इकुणीसशें इकवीस इसवेंत मुल्की नरसिंग राव म्हणचो कोंकणी अभ्यासक पुस्तक रूपार प्रकाशांत हाडता.

मंजेश्वर गोविंद पै. बंगलेकार नारायण कामतिक ताचे एक लिखाणांत कन्नड–कोंकणी कवी म्हणून आपयता. आनी ताणें जें गीत आनी संगीत नाटकां बरयलीं ते हृदयंगम जावन आसा म्हणता. तें वाचून ए.एन. कामत तसलो महान बरोवपी आपण्याल्या बरवणेक प्रोत्साहीत जालो म्हणूनय सांगता.

बंगलेकार नारायण कामतीन इकुणीसशें पांच इसवीचे उपरांत मुल्किंत साभार कन्नड संगीत नाटक बरोवन खेळयलीं. मुल्की तसल्या ल्हान गावांत नाटक खेळचे खातीरच मनोरमा हाल म्हणचे सभासाल बंगलेकार नारायण कामतिंनी बांदयलें. त्या काळार एक मनशान नाटक खेळचा खातीरच हाल बांदोवप म्हळयार रंगभूंयिक तागेले योगदान केदे व्हडले म्हणून आमका कळता. बी.आर. नागेश म्हणचो रंगकर्मीन केल्लो दक्षीण कन्नड जिल्लेच्या इकूणिसशें इस्वे दाकून इकूणिसशें धा मेरेनच्या रंगभूमी इतिहासाचे नियाळ केल्यार बंगलेकार नारायण कामतीचें नांव महत्वाचें दिसता. जाल्यार ताचे कोंकणीचे वाव्र, अभिमान आनी दिश्टावो हाजापरस महत्वाचे. हांव पयले सांगल्यावरी, तो गांव गांव भोंवन कोंकणी समाजांतले सुधारणे खातिर घोळतालो, कोंकणींत बरयल्यार अस्मिताय बरोवन हाडयेत म्हणचे कल्पना ताचेंत आशिल्ली, दुसऱ्यांकय तो बरोवपांत स्पूर्ती दितालो आनी खुद ताणे कोंकणीतं एदे व्हडले गीतामृत साकी म्हणचे ग्रंथय बरोवन दाकयले.

माका दिसता, ह्या बंगलेकार नारायण कामतीचे कोंकणी अभिमान, कोंकणी अस्मितायेचे खातीर ताचो अभियान, समाजांतले वायिट विचारांक सुधारण करचे तागेले वैचारिकता, कोंकणी अस्मिताय राखणे खातिर ताजे स्पश्ट विचार, कोंकणी भास परिषकार करका म्हणचो दिषटावो आनी स्वत: कोंकणी भाशेन साहित्य करुंक जाता म्हणून ताणे रचन करुन दाखयले गीतामृत साकी ह्या सकड वाव्रच, कन्नड सांस्कृतिक उजवाडा मधेंत बशिलो बोळंतूर कृष्ण प्रभूक कोंकणी अस्मितायेचे प्रती, कोंकणी भाषेचे प्रती अभिमान जागृत करुन असूयेता. तोच आशीलो तो सुधारक जेचे कोंकणी भाशेचे अभिवृद्धीचे अपेक्षा आनी प्रयत्नां बोळंतूर कृष्ण प्रभूक एक संतोसाची खबर म्हणू दिसली. आतां आमचे मनांत एक प्रश्न उबजता. तितले जबरदस्त प्रेरणा मेळतना बोळंतूरान त्या मनशाचे नांव कित्याक बरयिले ना ? हाका एक कारण आसा.

बंगलेकार नारायण कामत एक सुधारक आनी झुजारी आशिलो. जेन्ना सारस्वत समाजाचे वेगवेगळे पोटबेधांचे निवारणे खातीर आनी आनी समाजाचे एकवटे खातीर चळवळ ताणे केली, तेन्ना अपांक्त्यालागीं जेवन **जातिभ्रषटाचार ताणे केल्ला** म्हणचो आरोप ताचे वयर पडता.

त्या कारणान सारस्वत समाजाचे प्रमुख मठ ताका बहिष्कार घालता. आनी बंगलेकार नारायण कामत त्या बहिषकाराचे विरुद्ध मठाचेर कोर्ट केस दाखल करून झुजता.

बोळंतूराचे भितर समाज सुधारणेचे ध्यास्त आमका ताचे कन्नड पद्यांत कळून येता. जाल्यारीय बोळंतूर कृष्ण प्रभू नारायण कामतिचे वरी श्रींमत न्हंय. बंटवाळा तसले ल्हान गांवांच्या संप्रदायस्थ, मठाभिमानी लोकांक फुडें घालून ताणें थंय वांचूक, कठीण म्हणू तो जाणा. माका दिसता ह्याच भीतिक लागून आपण्याले नाटकाचे प्रेरणा पुरुष कोण म्हणून लोकांक कळयनासताना तो रावलो जावयेत.

हांगा आनियेक साम्य पळोवयेता. बंगले नारायण कामतान कन्नड भाशेन प्रहलाद चरित्र, द्रौपदी वस्त्राहरण म्हणचे संगीत नाटकां बरयलीं. बोळंतूरान चंद्रहासा फाटल्यान हेंच नावांचे कोंकणी संगीत नाटक बरयलीं. हें एक साम्य मात्र, दोनूय नाटककार क्रियाशील स्वतंत्र आंसूयेता.

2. बोळंतूरांचे कोंकणी अस्मितायेचे प्रती ध्यास्त :

बोळंतूर जावो बंगलेकार जावो तांचे भितर आशिल्ली ती प्रेरणा ती उमेद फकत एक नाटक वा काव्य बरोवपाचे खातिरच सीमीत नाशिल्लें. तें काव्य तें नाटक एक व्हडलो दिश्टावो साकार करचे वाटेर तांनी घेतिल्ले योचनाबद्ध पावलं आशिल्लीं. ह्या विचार बोळूंतरांचे इकुणीसशें सत्रावेंत प्रकाशित केल्ले प्रहलाद चरित्र नाटकाचे प्रस्तावनेंत आमका दिसता.

आमगेले भाशाबांधव विंगड विंगड गांवांतू आस्सती. जाल्यारी एक गांवचा भाशेक आनी दुसरे गांवचा भाशेक सबार भेदू आसा. आनी स्वल्प काळ गेल्यानंतर बहुशा हो भेदू विपरीत वाड्डून भासोची विंगड जात्तीत. आनी आमगेल्यांतू आशीले बांधव्य चुक्कून वचत की म्हणू संशय दिसता. हें निवारण करुंक कोंकणी भाशेंत ग्रंथ प्रचाराक येवचे मुख्य उपाय.

हें उतरांतू वेगवेगळे प्रांत्यांतले कोंकणी उलोवपी लोकांचे बांधव्य व्हाडोचे एक दिश्टावो आसा. आनी त्या खातीर भाशेचे प्रमाणीकरण गरजेचें म्हणजे चिंतप स्पश्ट दिसता. बोळंतूरान फक्त ह्या नाटक बरोवन दवरनी. या आपण्यान प्रिंटींग प्रेस केला आनी थंय फुरसता आसताना हे छापलें तशें न्हंय. ताणे शाळेंत ते नाटक खेळयलें, कोची मेरेन पावयलें. म्हणताना तांची योजनाबद्ध वाव्राचे अंदाजो आका जाता. आतां दोन उतरांनी बोळंतूरांन बरयिले कोंकणी नाटकाचे वस्तू चंद्रहास काणियेचे विचार सांगून म्हजे पेपर सोंपयता.

3. चंद्रहास नाटकाचे वस्तू आनी ताचा मागशीचे सांस्कृतिक प्रेरणा :

चंद्रहासाची काणी पयल्यान पयले महाभारताचे अश्वमेधिक पर्वांत येता. प्रख्यात कन्नड कवी जैमिनीन सोळावे शेकडेचे मजगतींत बरयिले जैमिनी भारत काव्यांत विशेष रीतिन प्रकट जाला.

बोळंतूराचे कोंकणी चंद्रहास नाटकाच्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरयिलो बंटवाळ पुंडरीक बाळिगा मंगळूरचे केनरा शाळेंत कन्नड अध्यापक जावन आशिल्लो. तो मंजेश्वर गोविंद पै आनी एं.एन. कामत हांचो अध्यापक आनी पंजे मंगेशराव तसल्या साहित्यिकाचो सहोद्योगी. ताणे त्या प्रस्तावनेंत अशें बरयला.

मराटी आनी करनाटक कवीनी हेंची नाटक तांगेल्या भाशेन बरयिले तश्शीची आजी आमगेले भाशेनय प्रकट जाल्लें म्हण तेन्ना स्पश्टतायेन आमका चंद्रहास नाटक त्या वेळार कन्नड आनी मराठी रंगभूंयेंत आशिले म्हणू कळता. हाका पूरक जावन कोंकणी मनशांचे मनांत चंद्रहासाचे वस्तू मस्त काळदाकून आसूंक पूरो म्हणचाक एक पुरावो जावन एक कौतुकाचे घडित:

ह्या घडित मंजेश्वर गोविंद पैन दाखल केल्ला. अटराशेंनवद आनी तीन इसवेंत मंद्रासचो गवरनर लारड वेनलाक मंगळूराक पावता आनी तागेले येवकाराक मंगळूरचे कांय कोंकणी युवकांचे पंगड, कुंदापुर कृषणराव हांनी बरयिले चंद्रहास इंगलीश नाटक प्रस्तुत करता. अटराशेंनवद आनी तीन इसवेंत. ह्या नाटकांत दुषटबुद्धिची भूमिका पंजे मंगेश राव हांनी घेतिल्ली अशें गोविंद पै बरयता. हे बोळंतूरान चंद्रहास

नाटक कोंकर्णीत बरोवचे इकूणीस वरसा फाटी घडल्ले घडित.

तशेंच एक नियाळ यक्षगानाचे रंगभूमीर चंद्रहास काणियेचे प्रयोग पळयल्यार अटराशें इसवी दाकून इकुणीसशें इसवी मेरेन पांच प्रसंग वेगवेगळे प्रसंगकर्तांनी बरयला. तांतू प्रमुख जावन इकूणीसशें शेकडेचो श्रेश्ट यक्षगान कवी म्हणून घेतिल्लो कोंकणी मनीस म–वासुदेव प्रभू हांनी बरयिले चंद्रहास चरित म्हणजे कन्नड भाशेचे यक्षगान प्रसंग.

ह्या सकड, रंगभूंयी प्रिय कोंकणी समाजांचे जनमानसांत चंद्रहासाली रम्य काणी त्या काळार जनप्रिय आशिल्ली म्हणूंक कांय पुरावो. ह्याच जनप्रियतेक लागून बोळंतूर कृष्ण प्रभून चंद्रहास काणी आपण्याल्या कोंकणी नाटकाचे वस्तू जावन काण घेतले जावयेत.

उपसंहार :

हांव ह्या प्रबंध बरोवचे पयले कोंकणीचे पयलेवयले नाटक चंद्रहासाचे मागशीचे प्रेरणा कितें आसूंक पूरो म्हणचे सोधाक बशिलो. जाल्यार बरोवन सोंपयताना, ह्या नाटकाचे रचना फाटल्याची प्रेरणा फकत नाटक बरोवपा खातीर मात न्हंय कोंकणी भाशेचे प्रमाणीकरण आनी कोंकणी अस्मितायेचे राखण तसलो दिश्टावो साकार करचाक आशिल्ली म्हणू माका दिसून आसलें. आनी ह्या प्रबंध बरोवचाक हांवे विनियोग केल्ले समय आनी श्रम सार्थक अशें दिसले.

ग्रंथरीण

1. कोंकणी भाशेन संगीत चंद्रहास नाटक : बोळंतूरु कृष्ण प्रभू
2. कोंकणी भाशेन संगीत प्रहलाद चरित्र नाटक : बोळंतूरु कृष्ण प्रभू
3. कवी साहिती सामाजिक धुरीण बोळंतूरु कृष्ण प्रभू : नीर्पाजे भीमभट
४. कोंकणी रंगभूमिय निर्मातृ : बी मधुकर मल्या
5. ए. हिसटरी आफ कोंकणी लिटरेचर : डॉ. मनोहरराय सरदेसाय
6. एं.एन.कामतरु/कनसाद ननसू : एं. गोविंद पै : गो.पै. संशोधन संपुट
7. नाटक चटुवटिके / पोली : बी. आर. नागेश
8. दक्षिण कन्नडद प्राचीन इतिहास : मंजेश्वर गणपती राव ऐगळ
9. बंगलेकार नारायण कामत / होंबिदिरु : वामन नंदावर
10. गीतामृत साकी : कविपुंगव बंगले नारायण कामत
11. हंसधवनी : संतोषकुमार गुलवाडी

गोवा कोंकणी अकादेमी

(गोवा सरकारान स्थापना केल्ली संस्था)

स्थापना - 1986

अकादेमीचे मुखेल उपक्रम

1. व्याकरण, उतरावळी, शब्दकोश उजवाडावप.
2. बालसाहित्य प्रकाशन / बाल नवलिका रचना प्रकल्प
3. बालसाहित्य संमेलन
4. 'पयलो चंवर' येवजणेवरवीं लेखकाच्या पयल्या पुस्तकाक अर्थीक पालव
5. प्रकाशकांक अर्थीक पालव - साहित्य प्रभा / प्रतिभा सन्मान येवजण्यो
6. कोंकणी नाटक-तियात्र महोत्सवाचें आयोजन
7. लोकवेद संकलन आनी प्रकाशन / लोकवेदाच्या वावरा खातीर शिश्यवृत्ती
8. हेर भाशेंतल्या वेंचीक पुस्तकांचो कोंकणीत अनुवाद आनी प्रकाशन
9. क्लॅरीसा वाझ ई मोरानास (भासशास्त्रीय) संशोधनवृत्ती
10. कोंकणी प्रमाणपत्र परिक्षा (प्रारंभ, प्रवेश, परिचय, प्रवीण, पारंगत आनी प्रज्ञा)
11. युवा कोंकणी साहित्य संमेलनाचें आयोजन
12. हेर लिपयांतल्या कोंकणी साहित्याचें देवनागरींत लिप्यांतर
13. साहित्यीक कार्यावळी, परिसंवाद, मेळावे, कार्यशाळा हांचें आयोजन
14. कोंकणी संस्थां कडेन संपर्क, समन्वय आनी सहकार्य
15. नाटक-तियात्र मांड (नाटक-तियात्राची पुस्तकां-प्रकाशन) येवजण
16. कोंकणी शिक्षणीक शिश्यवृत्ती
17. साहित्य-सेवा पुरस्कार
18. संगीत कार्यावळ निर्मिती आदार येवजण
19. मौलिक आनी संदर्भ ग्रंथांचें कोंकणीत तशेंच इंग्लिश आनी मराठींत प्रकाशन

गोवा कोंकणी अकादेमी

243, पाटो कॉलनी, पणजी, गोंय 403 001

फोन नं. 0832-2437385 / 87, 2437920, Fax No. 2437920

Website : www.goakonkaniakademi.org

परिशदेच्या अधिवेशनाक उपाट जैत आंवडेतात